


# कथन

संः वल्ली क्वाड्रस

एडवीन जे. एफ. डिसोजाच्या कथेंचेर
कथापाठ शिंकळ-VII चेर
सादर जाल्लीं प्रपतरां

आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल इ-पुस्तक
लिपिभायली कोंकणी येवजणेखाल

# कथन

## सं: वल्ली क्वाड्रस

एडवीन जे. एफ. डिसोजाच्या कथेंचेर

कथापाठ शिंकळ–VII चेर

सादर जाल्लीं प्रपतरां

(**लिपिभायली कोंकणी** येवजणेखाल)

**Kathan** - *A compilation of critical essays exploring Edwin J.F. Dsouza's short stories, originally presented at Kathapatt Series VII. Transliterated and edited by **Valley Quadros**, and published by **Ashawadi Prakashan**.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN


| | |
|---|---|
| First Print | : 2026 |
| Cover | : Ashawadi |
| Layout | : Assisi Press, Mangalore |
| Pages | : 52 + 4 |
| ISBN | : 978-81-689586-1-6 |
| Price | : Rs.150 |


*For communication* **Email**: ashawadi@gmail.com

**WhatsApp**: 7021967880

# मांडावळ


1. **काळोकांत जियेवन सवय जालेल्यांक उज्वाड दोळ्यांक खोंक्ता** 5

2. **कोंकणींत कथा अध्ययनाचें महत्व** 8

3. **कोंकणी बियोंड स्क्रिप्ट (Konkani Beyond Script)** 11

4. (कथा) **बणपकड्डी** - Crayons – (रंगीत खडू वा लाप्स). 14

5. (कथा) **मेतीक एक पाटो**/मूळ इंग्लिश A Collar for Moti. 21

6. (कथा) **कागदाची स्त्री** 24

7. (कथा) **एक कप हुनोनी कोपी** 26

8. (प्रपत्र) **एडवीन जे. एफ. डिसौजा हांच्या कथांचें आकलन** 30

9. (समीक्षा) **चल दोन चंद्रांक पुस्तकाचेर समीक्षा** 36

10. (प्रपत्र) **एडवीन डिसौजा हांच्यो कथा: एक नियाळ** 41

11. **आशावादी प्रकाशनाचीं पुस्तकां** 48

# धिनवास तुमकां

**कथापाठ शिंखळ - VII** आधार दिलेल्याक

**मानेस्त माय्कल डिसोज आनी कुटम, दुभाय**



# काळोकांत जियेवन सवय जालेल्यांक उज्वाड दोळ्यांक खोंक्ता



कोंकणी भास सभार शेकड्यां थावन लोकाच्या जिण्येंत व्हाळोन आयलली भास म्हळ्ळें आमीं समजतांव, पूण साहित्यीक पांवडार कोंकणी भास लगबग देडशीं वर्सां (१८८९ इस्वेंत सुर्वात जाल्लें पयलें नेमाळें थावन लेकाक धर्चे तर). ह्या देडशें वर्सांनी ह्या भासेक अपल्या जिण्येंत पोसून आयिल्ले कांय महा-शिकपी व पंडीत न्हय. देडशें वर्सां चड जातीत तर पाटलीं पन्नास वर्सांची समाजीक, आर्थीक, राजकीय परिस्थिती आमकां कळीत आसा. आज आमी तांत्रिकतेची उपलब्धी आसोन, शिकप आसोन अजीक देडशें वर्सांत जियेतेल्या लोकांक आयच्या मापदंडांत तुकुंक जायना. देकून थोडीं मुळावी समजणी भास/शिकप विशीं आरांवची तर;

पयली: कोंकणी भास कोणेंय इसकोलांनी शिकलली भास न्हय.

दुस्री: कोंकणी साहित्य रचन केल्ले कोणयी 'साहित्य म्हळ्यार कितें तें शिकोन' साहित्य रचलले न्हय.

तर वाचुंक आनी बरवंक अपशेंच शिकलेले न्हय. दोन प्रमूक विधानांनी तीं कोंकणी वाचुंक आनी बरवंक शिकलीं:

पयलें: धार्मीक बर्पांनी, इगर्जेनी मागणीं, भक्तीक गितां/कांतारां, वांजेल वाचून येंवचें चडुणें सर्वांक गर्जेचें जावन आसलें.

दुस्रें: अपल्या कुटमाचीं पर्गांवांत घोळोन आसलेल्या वेळार तांकां तप्पालार चिटी बरंवची एक रिवाज आसली, अशें एकामेकाची खबर चिटीं मुखांत्र मात्र जावन आसचो तो काळ आसलो.

ह्या संधर्भार विशेस शिकपी न्हय तरयी, अपल्या जिण्येचे अनभोग, साहितीक रुपार बरवन बरवन शिकललेच चड; जांव ते कथाकार, कवी, कादंबरिकार वा नाटकिसत. तवळ जायतीं नेमाळीं कोंकणिंत आसतालीं; हफ्त्याळीं, पंद्राळीं, म्हयन्याळीं. आनी ह्या सर्व नेमाळ्यांक खायस कर्चो वाचपी वर्गयी आसलो. पूण एक सत सुटावें सांगचें तर; कोणेंच दुडवाच्या वा पुरसकाराच्या आशेन बरवंक धरल्लें ना. कित्याक म्हळ्यार तेदनां दुडुयी नातलो, पुरसकारयी नातले. पिसाय म्हणा वा हव्यास, पूण साहित्य बरंवची खोरोज आसली.

पूण वेळाकाळानुसार शिकप आयलें, लोकाची समाजीक, आर्थीक परिस्थिती सुधारली. शिकप लाभलें पूण त्या मट्टार कोंकणी साहित्य बरवप्यांनी मुकार आयिल्लें वा येंवचें म्हाका दिसोन येना. चडतावांक इल्ली माहेत तांच्या कानार पडता; जांव ती

इगर्जेनी/रेतिरेंनी प्रसंगारुपार, वा थंय हांगा पळेल्ल्या/आयकल्ल्याचेर लब्दोन. आनी कानीं पडल्ली (जोडल्ली) माहेतच गिन्यान म्हणचेपरीं बरयतात. हांकां 'माहेत' कारण कर्ता 'समजणी' जोडुंक, जोडलली समजणी जिण्येंत गळसुंचें 'गिन्यान'. हेंच व्हडलें दुरंत भगून जियेतात चडताव 'महान साहिती'. कोंकणिचें अन्येक लाचारपण म्हळ्यार 'मत नातल्ल्यांक गत नातल्लो' म्हळ्ळेपरीं, ह्या माहेतिचेर बरयिल्लें आरावन छापचे संपादक म्हणताना कोंकणिंत 'शिक्षण' सोड्यां, अपणाचें सोडन हेरांचें वाचुंक सांगल्यार 'जीव गेल्यारी व्हण ना पूण हेरांचें वाचुंक हीं वचानांत'. फकत अकस्मीत पळेतात आनी पळेल्लेंच मतिंत भरलेल्या विकापरीं फयसल कर्तात. हांकां काळोकांत जियेवन सवय जाल्या, कित्याक म्हळ्यार कांय इल्लें बरयतीत तर, आनी 'गत नातल्ले' संपादक तें छाप्तीत तर, तितलेंच पुरो. ते मागीर निट्ट सर्गाक. मागीर समाजीक माध्यमांनी वांटचें कितें, तांच्या भक्तांची शिफारस कितें, कांय नोबेल पुरसकार मेळ्ळेलेपरीं लेक्तात. इल्ले दिसांनी तांचें पुसतक येता, सर्कसाक नवेंच रूप येता, उपरांत पुरसकाराच्या लायनीर उभे. आजकाल बरवप्यांच्याकी चड पुरसकार आसात जाल्ल्यान कांय पुरसकार लाभलो तर उपरांत तेच पंडीत. तो पुरसकार कसलोय आसों, कोणेंय दिल्लो आसों वा कसल्याय संक-पाशणाचो आसों. तो पुरसकार न्हय?

एडवीन जे. एफ. डिसोजाक हांव सभार कारणांक लागोन मांधतां. तांतू एक कारण म्हळ्यार तो हेरांचें वाचतालो. म्हज्या समजणेपरकार ताच्या समकाळीन बरवप्यां पयकिंत हेरांचें वासची श्याथी आसललो एडवीन मात्र. कित्याक म्हळ्यार ताचेलागीं शिकप आसलें, समजणी आसली. च्यार गांवांनी भंवल्लो तो, हेर भासेंतलें साहित्य वाचतालो. म्हज्या सभार बर्पांचेर ताणें समीक्षा केल्ली आसा. म्हाका केदनांय मंगळुराक भेट दिंवच्या संधर्भार एडविनाक मेळचें आनी ताचेसवें थोडो वेळ खर्चुंचें म्हळ्यार एक पुसतक वाचललो अनभोग जातालो. 'हेर भासांनी जेदनां थोडे बरवपी मेळताना थंयचर साहितीक चर्चा चल्ता, पूण कोंकणिंत एकामेकाच्यो खबरो जातात'. आनी हेच कारणांक लागोन आज कोंकणिंत पुरसकाराक लागोन बरयतेले चड देकून पुरसकारांक मोल ना.

२००० इस्वेंत हांव कुवेयटांत 'ऐटी प्रोजेकट म्यानेजर' जावन काम करून आसलेवेळार, अखील भारतीय लेखकांच्या एक्ताराचो जेराल कार्यदर्शी जावनासलों. देकून हऱ्येका मयन्याक मेळावो आसतालो. त्या मेळाव्यांत एक रेग्र आसली; एक साहितीक चर्चा, आनी सर्वांनी आपापलें एक कविता इंगलिशांत व हिंदिंत तर्जण करून वासचें. तेदनां हांवें चिंतलें, जर्तर हेर भासेंनी अशें चल्ता तर कोंकणिंत सयत कित्याक न्हजो? अशें सुर्वात केल्ली म्हयन्याळ्या अध्ययनाची 'कवितापाठ'. साहितीक आसक्त आसच्यांक लागीं हाडन कांय तीन-च्यार वर्सां हऱ्येका म्हयन्याक चुकानासतां हीं अध्ययनां चलयलीं, ह्या अध्ययनां लेखनांक एकटांय करून 'कवितापाठ', 'दऱ्याक उदक', 'काळोक नातलो गांव' अशें तीन पुसतका रुपार पर्गटलीं. पूण हांव मुळान कथाकार जाल्ल्यान २००४ इस्वेंत 'कथापाठ' डिजिटल रुपार अध्ययन सुर्वातलें. दायज.कोमचेर एक कथा पर्गटची, उपरांत त्या कथेचेर आयिल्लीं समीक्षा लेखनां

पर्गटचीं. पूण आमचे कथाकार कितले विशाल नद्रेचे म्हळ्यार तांची दिषट तांच्या तळहात उत्रोन सयत वचाना, असल्या परिस्थितेंत हेरांचें वाचुंक मन/वेळ नातल्यार 'समीक्षा' मयलां पयसिली वाट. अन्येक भिरांत/कावजेणी तांकां आसली म्हळ्यार 'हेरांचें अपणान खेंडल्यार, फाल्यां अपणाचें सयत हेरां खेंडतीत' म्हळ्ळी; जशें इंगलिशांत एक सांगणी आसा (*If you live in glass house then dont throw stones on others*), देकून हांकां घोंखचे/चाबकोर पेटे जाय. हाडां/बिसकुटो दिल्यार अशें घोंकचे/चाबचे पेटे कशेय सवाय सांत आसात कोंकणिंत. ही गजाल सर्वांक कळीत आसचीच पूण कोणच पर्गट उलयनांत आसों.

कथापाठ अध्ययनांत पाटल्या स वेबिनार शिंकळेंनी कांय पन्नासांलागीं वेबिनारां चल्लीं. हीं परिपूर्ण न्हय आस्येत पूण एक सुर्वात तरी केली म्हळ्ळी तृप्ती आसा. हेरांच्या कथेंचेर अध्ययन चलंवचें मन आसचांक लागीं घेवन हीं कामासाळां भोव वेवसतीत रितीन चलवन आयल्यांव. मंगळुरांत ही समजणी आसचीं कोणयी मयलां मयलां पयस दिश्टीक पडानांत, पूण गोंयांत उर्भा आस्नी आसक्त आसचीं सभारां आसात. पूण तांकां लिपी/बोलिची अडकळ आसा, आनी ती निवारुंक तांत्रीक मजत घेवन कन्नड लिपिच्यो कथा लिप्यंतर करून तांकां दिंवचें काम हांव कर्तां, अशें ह्या कथेंचेर बरयिल्लीं प्रपत्रां हांव वेळार वोरावन पळेतां, गर्जेची तिद्वण सयत करयतां आनी नम्यारलेल्या दिसाच्या वेबिनाराचेर हीं प्रपत्रां सादर जातात. येदोळच च्यार पुसतकां ('कथाविहान', 'चल दोन चंद्रांक', 'साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा', 'कथापाठ') ह्या प्रपत्रांक पर्गटुंक सकल्यांव. 'कथन' पांचवें पुसतक.

भोव बेजारायेची गजाल म्हळ्यार आसा म्हणचाक आमचेलागीं सर्व आसा, अकाडेमी आसा, अध्ययन पीठ आसा. पूण 'अध्ययन' मात्र कोणाकच नाका. जशें हेर संघटनां वेदिकाऱ्यीं मांडून हाडचांत वेसतगी, तशेंच हीं सयत वेदी काऱ्यांनी मग्न. 'यारद्दो दुड्डू येल्लम्मन जात्रे (कोणाचोकी दुडू आनी एल्लम्मचो जात्रो)' म्हळ्ळेपरीं चल्ता कारबार. हांचो विचार कर्पीय ना हांका बूद सांगपीय कोण ना, सांगल्यारी आयकतीत म्हळ्ळें धयर सयत ना.

कोंकणी बियोंड स्क्रिपट म्हळ्यार कसल्योच बंधड (लिपी, बोली, प्रांत्य..) नासतां कोंकणिचें बरें साहित्य एका लिपिथावन अन्येका लिपीक व्हचें मिसांव. हांगासर दुडू ना, नांव ना पुरसकार ना. फकत काम, तेंय आवाज नासतां. काळोकाक दुर्सोंच्ये प्रास वात पेटंवची एक पिसाय. आतां ही पेटयिल्ली वात कितलो तेंप झळोन उर्ता तें महत्वाचें न्हय. पूण ह्या पेटयलेल्या वातिंत कितलेश्यांक दोळे सोडन पळेंवची उर्भा येता तें महत्वाचें. जशें सुर्वातेर सांगलेलेपरीं 'काळोकांत जियेवन सवयेर पडलेल्यांक उज्वाडांत दोळे खोंक्तात', देकून तीं दोळे धांप्तीत, धांपुंदीत.

कोंकणिचें सदां बरेंच जांव,

**वल्ली क्वाड्रस**
(कोंकणी चाकोर)

# कोंकणींत कथा अध्ययनाचें महत्व




लघुकथेची तुळा चड करून घरापरस जनेलाकडेन करतात. कांय पानां भितर ती एक संवसार उगडटा, संघर्श उक्तो करता, पात्रांचेर उजवाड घालता आनी वाचप्याखातीर प्रस्न सोडटा. बरी कथा पुराय जिवीत, इतिहास आनी तत्वगिन्यान मुठभर दृश्यांनी आनी जतनायेन वेंचून काडिल्ल्या उतरांनी मांडटा. साहित्य समिक्षेक लागून कथेच्या अर्थाची ही घनताय वळखुपाक आनी तिची कदर करपाक मेळटा.

लेखकान एक खाशेलें कथन कित्याक वेंचून काडलां? तातूंत येवपी प्रतिमा वा दिसपी घडणूकांचें म्हत्व कितें? कथा कशी सोंपता? अशे प्रस्न वाचनाक फकत मनरीजवणे परस फुडें व्हरून ताचें रुपांतर सक्रीय बौध्दिक आनी कल्पक संलग्नतायेंत करता.

साहित्य समिक्षेंतल्यान कथेची कलाकुसर उक्ती जाता. काणयेंतल्या दर एक उतराक वजन आसता. विस्तारान वर्णन आनी जायत्या उपकथानांक परवानगी दिवपी कादंबरी परस कथा वेगळी. ती सुक्ष्मताय, सुचोवणी आनी उतरांची अर्थवेवस्था हांचेर आदारून आसता. कथानक, चरित्रचित्रण, प्रतीकवाद, विडंबन, प्रतिमा, संवाद, नदर आनी कथात्मक रचणूक एकठांय येवन भावनीक आनी सौंदर्यशास्त्रीय परिणाम कशे तयार करतात हाचेर समीक्षा उजवाड घालता.

तितलेंच म्हत्वाचें म्हणल्यार साहित्य समीक्षा कथेक तिच्या इतिहासीक, समाजीक, राजकी आनी संस्कृतीक संदर्भा भितर स्थापन करतात. दरेक कथा एका खासा काळांतल्यान आनी सुवातेवेल्यान उदेता. शार, गांव, लोकजीण  थळांतर वा आनीक कसलेंय  चित्रण आसूं , तातूंल्यान धर्म,  जात, वर्ग, लिंग, वसाहतवाद, अस्मिताय, पर्यावरणशास्त्र वा जागतीकीकरण हांचे प्रस्न प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्ष रीतीन दिसूंक शकतात. मार्क्सवादी, नारीवादी, उत्तर वसाहतवादी, मनोविश्लेशणात्मक, पर्यावरणीय समिक्षात्मक वा उपविमर्शीक समिक्षात्मक पद्दतींनी हे खोल थर उक्ते जातात आनी साहित्य समाजापसून वेगळें करपाक मेळना हें दाखयता.

लेखकां खातीर समिक्षा एक हारसो आनी मार्गदर्शक.  बारीकसाणीन विमर्शीक वाचन केल्यार कुशळ लेखक वातावरण कशे तयार करतात, पात्रांची उदरगत कशी करतात, ताण कसो तिगोवन दवरतात, प्रतीकात्मकताय कशे वापरतात आनी शेवट कसो करतात हें स्पश्ट जाता.

दरेक युग साहित्य कृती वेगवेगळे तरेन वाचता कारण दरेक पिळगी नव्या समाजीक वास्तवाक तोंड दिता आनी नवे प्रस्न विचारता. दसकां आदीं बरयल्ली काणी पर्यावरणाची उणीव, थळांतर , तंत्रीक बदल वा संस्कृतीक अस्मिताय अशे समकालीन

हुस्के उजवाडाक हाडूं येता. मजकूर आनी वाचप्यांमदीं संवादाचें सतत नवे अर्थ काडून समिक्षा साहित्य जिवें दवरता.


आर्विल्ल्या कोंकणी साहित्यांत एडविन जे. एफ. डिसोझान सुमार स दसकांचे साहित्यीक कारकिर्दींत शंबरां परस चड लघुकथा बरयल्यात. तातूंत सादारण मनशांचें जिवीत, आकांक्षा, संघर्श, नैतीक दुविधा हांचें चित्रण केलां. ताच्या कथांनी वास्तववादी चरित्रचित्रण, आकर्शक कथन आनी मनशाच्या मानसशास्त्राची बारीकसाणीन समजूत आसा. दिसपट्टे जिणेचो आदार घेवन तो कुटुंबीक संबंद, समाजीक बदल, श्रध्दा, मोग, एकसुरेपण, नैतीक संघर्श ह्या विशयांचेर संशोधन करता. ताचें गद्य सुस्पश्ट आनी सुलभ आसून, चड करून सौम्य विनोद, विडंबन आनी भावनीक उब हांणी समृध्द केल्लें आसा.

डॉ. चंद्रलेखा डिसोझा, डॉ. रेश्मा खोलकार आनी बाब धर्मा चोडणकार हाणीं कथापाठांत सादर केल्ल्या प्रपत्रांतल्यान हातूंतले बरेच आयाम उक्ते जातात. तिनूय प्रपत्रां ताच्या कथांविशींचीं समजूत वाडयता.

हो अभ्यास साहित्याच्या विद्यार्थ्यां खातीर भोव म्हत्वाचो. हातूंतल्यान विमर्शीक विचार जाता. विद्यार्थ्यांक कथानका भायर वचून विशय, प्रतीकवाद, कथन तंत्र, चरित्रचित्रण, भास, विचारसरणी आनी इतिहासीक संदर्भ हांची तपासणी करूंक मेळटा. कथेंत फकत कितें घडटा तें विचारचे परस ती एके खाशेले पद्दतीन कित्याक बरयल्या अशें विचारपाक ते शिकतात. विद्यार्थ्यांक समीक्षेवयलीं पुस्तकां, नेमाळ्यांचे लेख, ग्रंथसंग्रह, उल्लेख पद्दत आनी शिक्षणीक डेटाबेस हांची वळख जाता. म्हायती आशिल्ली टिका आनी आदार नाशिल्लीं मतां हांचो भेद शिकूं येता.

पदव्युत्तर अभ्यास, शिकोवप वा साहित्य समिक्षा करपाचो हेत आशिल्ल्या विद्यार्थ्यां खातीर प्रपत्र सादरीकरण विद्वान चवकशीच्या पद्दतींचो आनी मानकांचो परिचय म्हूण काम करता.

**शैलेंद्र मेहता**
संपादक, वर्णमुद्र


Ashawadi Prakashan, St.Xaviers College, Dhempe College,
in collaboration with Goa Konkani Akademi, Karnataka Konkani Sahitya Akademi, Dalgado Konkani Akademi, In association with St.Aloysius University (Deemed), Fr.Agnel College Pilar, Carmel College Nuvem, Rosary College Navelim, Govt College Pernem, College of Arts Delem, Govt College Quepem organise
KATHAPATT - Series VII
Webinar Series for the Study of Konkani Short Stories
Supported by Michael Dsouza, Dubai
INAUGURAL WEBINAR
Inauguration: Jane Edwin Dsouza (Author, Columnist)
Key notes: Dr.Chandralekha Dsouza (Retired HOD, Goa University)
Fr.Luis Gomes (St.Xaviers College, Mapusa)
Anju Sakhardande (Dhempe College, Miramar)
Andrew L Dcunha (Author), Dr.Charles Lobo (Author)
Dr.Edward L Nazreth (Author), Willy Goes (Author)
Fr.Chetan Lobo (Editor: Kuttmacho Sevak)
Marcel M Dsouza (Former Editor, Amcho Yuvak)
Shailendra Mehta (Author), Rajashree Sail (Author)
4 July 2026 Saturday 4:00pm to 6:00pm
https://meet.google.com/fpq-majp-oiv
Edwin JF Dsouza
A study of Edwin JF Dsouza's short stories


Ko ङ णी
Konkani
Beyond Scripts
ASHAWADI PRAKASHAN

# कोंकणी बियोंड स्क्रिप्ट



मनशाक मनशापण सांबाळुंक अनी आनी ताका रुतां करुंक भास जाय, पुण त्या मनशाक आपली खास आस्मिताय राखुंक मांयभास जाय. ही भास उब्जाल्ली भाशा पंडितांच्या नियमावळीं थाव्न न्हय, ही उभ्जाल्ली साद्या मनशांच्या काळ्जांत थाव्न, तांच्या दिस्पट्ट्या जिविताच्या संघर्शा थाव्न अनी एकामेकाचो मोग सांबाळुंक केल्ल्या साद्या आवाजांत.

ह्याच दृष्टिकोनांत्ल्यान जेद्रां आमी कोंकणी भाशेक पळयतात, तवळ लिपिच्या भाय्र आसचो आवाजाचो विशाल संसार आमकां मेळ्ता; होच आसा आमच्या 'कोंकणी बियोंड स्क्रिप्ट' (**Konkanl Beyond Scripts**) म्हळ्यार लिपिभायली कोंकणि) मिसांवाचो प्राण.

लोकांच्या वोंटांचेर, काव्यांत, वोव्यो-वेरसांनी आनी काणियांनी ती लिपी नास्तानाच पिळ्गिपिळ्गेक प्रगत जाव्न व्हाळ्ळी. सुरवेक आवाज उत्रां जाव्न व्हाळ्ळो, आनी समाजेच्या बद्लावण्या तेकित चिंताप चड्ताना लिपी आनी बरप आयलें. समाजेंत जाल्ल्या बद्लावणे तेकित ही भास बद्लत गेली. चिंताप चड्ताना भास वाड्ली आनी ह्या वाडावळिंत आपल्या चिंतपाक कायं रूप दींव्क मनशान पयलें चित्रकला उब्जायली. उप्रांत चित्रां अनी लिपिन बरप आयलें. राजां अनी समड्त उब्जाताना बरव्न घाल्चें चडोन आयलें अनी सव्कास बरप चिंतपाचें, विचारांचे, प्रगतेचें सादन जालें. पुण ह्या सक्कड लिपी प्रगतेच्या पयलें, आवाजाचो माध्यम जाव्न आसल्लें तें साहित्याचें मूळरूप आमच्या मतिंत सांबाळुंक जाय.

कोंकणी भाशेचो इतिहास पळयल्यार, ती जन्मादीं थाव्न 'बियोंड स्क्रिप्ट'; म्हळ्यार लिपिच्यो गडी उत्रोन आसल्ली. आमचो पातळल्लो कोंकणी समाज विंगड-विंगड भूप्रदेशांनी आपल्या आस्मिताये सवें जियेताना, तांकां एकाच सूत्रान बांदुन दवरल्लें साधन म्हळ्यार आवाज आनी उत्रांचो सादो सांगात. कोंकणी तशें पळेल्यार सुरवातेक थाव्न लिपिच्या सांक्ळे थाव्न पय्स आसल्लि. म्हजो पण्जो कोंकणी जियेलो. ताका 'लिपि' म्हळ्ळ्या एका साहेताची ओळोक आसल्ली म्हण म्हाका कळित ना. ताचे थाव्न ही भास म्हजो अजो पियाद डि'कुन्हा हाका पाव्ली. तोयी खंय्च्याय लिपिच्या सांक्ळेक शिर्कानास्तां आपल्या जिवितांत कोंकणिचो मुक्त श्वास सेव्न जियेलो.

ताच्ये उपरांत म्हजो बापय; जाणें फकत तिस्री क्लास पर्यांत शिकप केल्लें, तो कोंकणी नेमाळीं व्हाच्तालो. पुण म्हजी आवय फकत पयली क्लास शिकल्ल्यान तिका व्हाचुंक येनासलें. म्हजो बापय सांजेर आपल्या गिन्यानांल्यान मागजिनांत्ल्यो काणियो, लॅखनां आनी कविता म्हज्ये आवय मुखार व्हर्न व्हड्ल्यान वाच्तालो आनी आमी भुर्गीं अतुरायेन आय्कताल्यांव. हांगासर म्हजो कोंकणी साहित्याचो पयलो अभ्यास सुरु जालो; व्हाचुन न्हय, तर फकत आय्कुन!

हांवें मुखार म्हजें साहित्य रचन करुंक कन्नड लिपिचो आधार घेत्लो. उन्नत साहित्य घडुंक लिपिची गरज आसा सत, लिपी खंडित जाय. लिपी फकत भाशेक सांबाळ्वें ऐक साहेत व आय्दान. लिपी म्हळ्यार स्वता भास न्हय.

आयलेवार हांवे बरयिल्लें विडंबन म्हज्या पतिणेक बारिच पसंद जालें. ती म्हणालि, जर म्हज्या माव्शेन आय्काल्यार खुशी जायत. हांवे वाचुन रेकोर्ड केलें. त्या उपरांत तें विडंबन कित्लेश्या कोंकणी लोकाक पाव्लें तांका वाचुंक येना. पुण कोंकणी लोक तो.

आमचो फुडारयी ह्याच वाटेन चलतलो. आमची मुख्ली पिळ्गी शिकप आस्तलें, पुण तीं खंय्च्याय एका लिपिंत मास्टर (प्रवीण) जातलीं म्हण सांगुंक जाय्ना. तांकां आपल्या जिविताच्ये गरजेतेकित साहित्याचो अत्रेग आस्तलो. तांतुं तीं म्हज्या बापाय बरिच आस्तलीं; जी लिपी जाणात ती वाचुंक आनी थोडें बरंव्क सक्तलिं, पुण साहित्याचो व्हाळो आवाजा मुखांत्र मुखार व्हरतलिं. आय्च्या डिजिटल युगांत, मनश्यान लिपी सोधुन काडचे पयलें जी मौखिक परंपरा आसलि, तिच आज नव्या रूपान अमच्या मुखार उबी आसा. अशें म्हण्ताना बरंव्वें उणें कचेंच न्हय. पुण अमच्या साहितिंनी कितें येदोळच बरयलां तें लिपिच्या सांक्ळे थाव्न सुटव्न बाशेच्या बांधान बांधुंक जाय. सांकळ (Chain) अनी बांधा (Bond) मधें फरक असा. सांख्ळ्यो भायल्यान आस्तात. त्यो एकांत हाड्तात. आज कोंकणी ह्या एकांतांत कष्टता. बांध बितलो. बांध आत्मीयताक बांद्ता. कोंकणी उराजे अनी फुलाजे तर सांक्ळ्यो उडव्न हो बांध घट कचो गरजेचो. हो बांध घडचें मिसांव कोंकणी बियोंड स्क्रिप्ट.

पुण ह्या मिसांवांत गरजेची व्हड गजाल म्हळ्यार; वांटुन घेंव्चें (Sharing). आमी जर आमचें साहित्य सारवत्रिक जाव्न वांटुन घेंव्क ना तर, आमचें मिसांव निर्फळ जातलें. हाका उग्तें-मन (Open-mind) भॊव गरजेचें. उग्तें मन नाल्यार कितें जाता म्हळ्ळ्याक आमचें संगीतच ऐक व्हड उदाहरण. आमचें कोंकणी संगीत आनी कांतारांच्या उत्रांक लिपी गरज आसली पुण उपरांत तांचें पय्ण उत्रांनी अनी कानां मुखांत्र. तीं एकामेका पावोंक लिपिची गरज नातल्ली. तशें आसल्यारी तीं फकत आपल्या निर्दिश्ट प्रदेशांनिच सीमित उर्लिं. कित्याक? कारण लोकां ओट्टारे आपलो अन्भोग वांटुंक आसची आव्साय अनी अमच्या प्रदेशा भायलें स्वीकार कर्चें उग्तें मन नातल्लेंच. आमी हें बद्लाय्जे पड्ता. आमकां ऐक मुक्त मन जाय जें सक्कड लिपियांच्या साहित्याक आवाजा मुखात्र आप्णायता. आमच्या साहित्याक मोगाचो सागोर कर्ची गरज आसा. म्हाका खयान सम्जाना अय्च्या डिजिटल काळार एका क्लिकार अमकां वाचन केल्ली काणी वा कविता अन्येक्ल्याक धाडुंक जाता जाल्यारी आमी कित्याक हें बरें काम करिनांव. आज हर लोका लागीं स्मार्ट फोन आसात. तीं माग्णीं आय्कातात. तर कोंकणी काणिंय आय्कोंक सक्तात न्हय? कोंकणी अवय खातिर इत्लेंय आमी कित्याक करिनांव? मोगान अमी वांट्यां. कोंकणिक मुक्त श्वासान जियेंव्क सोडचेंच कोंकणी बियोंड स्क्रिप्ट

कोंकणी फकत लिपिंत ना. कोंकणी काळ्जाच्या ताळ्यांत आसा. आनी ताचो हो ताळो; पिळ्गीं थाव्न पिळ्गीं पर्यांत; निरंतर गाजत रावुं.

**एंडरू एल डिकुन्हा**
सलहा समितिचो सांदो- **के.बि.एस**. (कोंकणी बियोंड स्क्रिप्ट)

# १. बण्ण कड्डी

कोमिसाच्या हातान्च तोंडावाळ्या वयलो घाम पुसित्त भितर आयिल्ल्या आपल्या घोवाक पंदल्या दोळ्यानी पळेलें मेरीन. दोन ड्रम घोटून आयला म्हण सात कोल पयस थावन्च सांग्येत आसल्लें; आज फाल्यां प्रोहिबिशन काडन घालुंक सर्कार तयार असा म्हण बेज्मी ताका सुमार दीस थावन सांग्तालो. पूण तुमकां कसलें फरक पडल्लें आसा, मेरीन नम्रतायेन विचार्चें आसल्लें. तुमका ह्या बेट्रेसेल्लांचोच जाय न्हय? तवळ तो हासतालो. तुका कसल्यांत उणे केलां म्हणगो बाणशीरया, तो विचार्तालो. दिसबर काम कर्तां, ते उदकाचे पायप लोरियेवयले देवंवचें काम कांय सुलभायेचें? तोंडांत येता, तोंडांत. रातीं घरा येताना कांय दोन मारले तर मुन्सिपालिटिचें कितें झर्ता खंय? तांचे पायप देववंक नांत आमीं? येकेका लोरियेक फकत्त चार जण दिल्यात ताणी. तुका कांय दोसतांगो? कितें आसा त्या कुंडल्यांत मुक्कितां आनी स्वसत निदतां पेल्यान.

बेज्मीन सांगल्लें आपूट सत देकून मेरी तिका तिडवप करिनातलें. तांचा तेगांचा संसारांत कांय उणेनातलें; कितें उणे आसा म्हण सोदचें प्रेतन्य ताणी केल्ले ना. पांचवे पऱ्यांत कन्नडा मिडियम शिकल्ल्या तांचा पुतान इंगलीश मिडियमांत शिकजाय म्हळ्ळी ताची आशा सयत्य बेज्मीन ज्यारी केल्ली. कोणा पाद्री माद्रिचे पांय धरून ताणे तांचा एकल्याच पुताक जुवांव बाप्तिसताक इंगलीश मिडियमांत बर्ती केल्लो. शाळेक वेचा पयल्या दिसा दर्जिथावन नवें हाडलेलें युनिफोर्म पुताक नेसयताना मेरीन म्हळ्ळें: वेगिंच तुजें नांव जोन ब्यापटिसट म्हण इंगलिशांत बरवन दाकय. आनी जुवांव बाप्तिसत, ताचें हें सोपाण्य जारी कर्चीं लक्षणा दाकयतालो. हो ह्या तेगांचो संसार.

"आज खंय पाप देवंयलें, तुमी?" मेरीन विचारलें. "पयलें न्हावन येतात या जेवाण काडूं?" हें सर्व सदांचें, यांत्रीक. बेज्मीन येदोळपऱ्यांत करिनातलें काम ना. कोणागेर वयटवोश तर आनी कोणागेर डिसटेंपर; कोणागेर माडा-खुब्यांचो कोयर काडचो, बोंडे कांतंवच्या उद्रांक आडावंक माडांक तगडां मार्चीं, कोणागेर दोरो बांदुंक कंत्राट घेंवचें, पाद्रिगाराचा घरांत उद्रांक मारुंक घूड मांडून दवर्चें. एक पावटीं माद्रिंचा कोव्ताचा उबार कंत्राळांत गांजील मुसानीं बांदल्ली पोळी उल्पावंक वचोन, मुसांचे मार खावन, तीन दीस मुल्लरांत तो निदल्लो.

पूण त्या दयाळ पाद्री-माद्रिनीं ताका सोडन घालोना. जुवांव बाप्तिसताक ताणी इंगलीश मिडियमांत सीट दिली. "आमी आशें कर्चें बारीच आपरूब, हां"! मुकेल मेसतिर्णीन मेरीक समजायलें. "व्हडांगेले पिले येतात हांगासर. तुमकां फीसांत माफी असा, आनी तुमी कुल्कारांचीं म्हण कोणाकी कळोंक न्हजो हां. आमीं आमचो स्टेंडर्ड सांबाळिजे न्हय-बा? देकून तुज्या पुताक टिपटोप नेसय, नितळाय सांबाळ.... आमी तुमकां व्हड एक उपकार केला म्हळ्ळें बेज्मी उडासांत दवरुंदीं, आसलीं कामा क्रिसतांवपणाचो भायलो गूर्त म्हण आमी मांदतांव-बा. आनी हां फाल्यां बेज्मीक चिक्केसे दाडताय? आयतार तरी व्हडना, आमच्या बांयत माजार पडलां....."

"एक लोड गोरिगुड्या मयदानार देवंयलें-गो!" तो म्हणालो. "कितें रांदलांय?" तो आपलें नेसण सोडिलागलो. "दोन चेंबू शेळें मात्यार घालून येतां" तो हासलो. " आनी काल्दी घराच हाडतां-गो मेरे!" तो पर्त्यान हासलो. "भायर्च मार्न आयल्यार मात्याक घाल्च्या उदका संगी मात्याक चडल्लेंय देंवता."

"तुमकां सोरया शिवाय हेर कांय सुसताता?" एका लांब उस्वासा संगी मेरी म्हणालें, पूण हें दुर्सवणें न्हय. "दिवरान, देंकळ्यांच्यो शिंकळी हाडल्यो. पियाव मुर्मुरावन घालन कडी केल्या तुमी नांवन येतात या...."

"या म्हळ्यार कितें?"

"पुताचो उडास आसागी तुमकां?"

"जेवन निदोंक ना तो?" बेज्मी हेणे तेणे पळेलागलो. आसचें एक साल, एक ल्हान कूड(हें बेज्मिन्च चडयिल्लें) आनी एक कुजन त्या बिडारांत. गर्मेंत बेज्मी सोप्यार निदतालो. "वोरां साडेआट उतरलीं"!

"ताचीं कामां ताणे केल्यांत पूण तुमकां कितेंगी दाकवंक आसा म्हणतालो, ताका नीद पडोवंक ना आसतेली. चिक्केसे आपयनांत?"

"कितेंरे पुता तें?, तुजो उडास ना पुता म्हाका... हांव चिक्केसे टायट जालां. भायर येरे बाळा..." बेज्मीन ताळो काडलो.

मेरीन सालांतल्या लांप्यांवाची वात चिकेसे व्हड केली.

जुवांव बाप्तिसत कुडाथावन दोळे घसटून भायर आयलो. ताच्या हातांत ल्हान एक कंर्डो आसल्लो.

"कितें लिपयताय-रे कण्णोजा?" ताणे पाद्देंवचें पळेवन मोगान विचारलें बेज्मीन.

जुवांव बाप्तिसतान आपल्या हातांतलो कंर्डो बेज्मी सामकार उभार्न धरलो. "ताका क्लास टिचरीन दिल्लो खंय," म्हळें मेरीन. "वेर्री गुड्ड म्हळें खंय".

"तोच्च सांगोंदी!" म्हणालो बेज्मी. "आनी तुजें इंगलीश नाका. म्हज्या पुताचेंच इंगलीश म्हाका आयकोंकजाय तूं पोट्टू पांच क्लासी शिकलांय म्हण हांव जाणा."

मेरी हासलें, बेज्मीक शिकप नातल्लें.

बेज्मीन पुताच्या हातांतलो कंर्डो घेतलो आनी उसयलो.

"कितें-रे पुता हें?" कंर्ड्यांत आसच्यो रंगाळ काडियो पळेवन ताणे विचारलें. "साक्रिच्यो काडियो?"

जुवांव बाप्तिसत कुत्त करून हासलो. "साक्रिच्यो काडियो न्हय, बाबा!" तो म्हणालो. "हांकां क्रेयोन्स म्हणतात. क्लासिंत सर्वांचाकी सोभित्त म्हजें हेंड्रायटिंग आनी म्हाका, म्हजें आनी म्हज्या स्कूलाचें नांव सार्कें इंगलिशांत बरवंक येता आनी बूकांतली पोयेट्री बैहार्ट म्हणोंक येता देकून मिस्सान म्हाका हे क्रेयोन्स दिल्यात...."

बेज्मी हेणे तेणे पळेलागलो आनी निमाणे मेरिच्याच मजतेक लागलो.

"क्रेयोन्स म्हळ्यार..... हां.... बण्णकड्डी," उत्रां सोदून विवरिलें मेरीन. "आमचो जोन ब्यापटिसट क्लासिंत सर्वांचाकी हुश्यार आसल्ल्यान ताचा टिचरीन ताका बण्णकड्डिंचो बोक्स दिला. ह्या बण्णकड्डिनी रंगाळ चित्रां सोडवंक जातात. हांवे ताका सांगला घराचे वणदिचेर कसलेंच सोडवन घालुंक न्हजो म्हण, वणदी पाड जातात....." तें पंदल्या दोळ्यानीं बेज्मीक पळेलागलें. वणदिंक वयटवास काडिनासतां जोन ब्यापटिसटाची प्राय जाल्ली. बेज्मीन, पुताचें मातें पोशेलें. "वेगिंच तुवें म्हजें आनी मांयचे नांव इंगलिशान बरवंक शिकाजे...." तो म्हणालो, कसलेंगी पयसिलें चिंतून.

"म्हजो नोटस बूक पळेताय, बाबा?"

"फाल्यां दाकय, पुता", म्हणालें मेरी. "बाबाक थक जाल्या".

जोन ब्यापटिसत खाल्तेपणी भितरल्या कुडाक गेलो.

सालाचा धर्णीर बसोन जेवाण कर्ताना मेरीन म्हळें, "ह्या आमच्या मुन्सिपालिटीक जालां तरी कितें? आमचा बांयांनी मोंवा-रुचिचें उदक आसताना हे पायप कित्याक? बांय सुक्तात म्हण? नळानीं येंवचें उदक कांय नितळ आसतेलें? तुंबे थावन हाडतात खंय, आमच्या बांयांनी साताट मुंडा उदक आसताना...."

"पांच क्लासी शिकलांय तरी तुजो मेंदू पोट्टूच उरलो,"...दुर्सालो बेज्मी. "हो संसार आतां आमचो न्हय-गो, मेरे".

"म्हळ्यार, नळानीं उदक आयिल्ले तक्षण आमीं मतींव?, आमच्यो बांयो सुक्तात?"

"अमी मर्चिनांव कोण्णा पूण आमच्यो बांय्यो सुक्तेल्यो... हेणे तेणे पळे-गो, म्हजे बायले.... कितलो लोक चडला पळे. हापाट्यार मेटाक एकलो आदाळता. आतां कासटेकुडक्या तेद्या जाग्यानीं दोन माळियेचीं घरां बांदतात. अमचाच वालेन्सियांत पळे. कितल्यो बांयो उर्तीत म्हणताय तूं? व्हडल्या रानांत आसच्या त्या बांयतलें उदक कोणाकी नाका. तांतू कितल्या जणानीं उडकी मारल्या म्हण तूं जणांय? बांयो उरल्यारी उदक काडतेल्यांची गत आसा-गो? आमचा आतांच्यांक लाट्या-लाटिचें उदक वोडुंक पाट बाग्वात? हांव आशिकपी व्हय-गो, पूण आमचाच पिल्काट्याक पळे. ताका आतांच इंगलीश बरवंक-वाचुंक-उलवंक येता.... फाल्यां मुन्सिपालिटिचो इजनेर जाल्यारी जालो आनी बोबकट्ट चलियेलागीं काजार जाल्यारी जालो... आतांच बण्णकड्डी हडून आयलामू? तसल्यांक उदक वोड म्हण सांगोंक जातागो मेरे? सर्काराक कितें तकली समाना म्हण चिंताय तूं?"

इतल्या लांबायेन उलयिल्ल्या आपल्या घोवाक दोळे आशीर करून पळेलागलें मेरी. तुका थोडें शिकप मेळल्लें तर तूंय मुन्सिपालिटिचो इंजिनियर जातोय, पूण तो फडपशी बनावटी 'मरण' पंडीत नारायण आज, डोकटर नारायण गुंटला जाल्लेपरीं न्हय, तें पुस्पुसलें, दांता इड्यांतल्यान.

"कितें पुर्पुर्ताय?" बेज्मीन विचारलें. "नतालामेचा बांयतलें उदक वोडून तूंयी थक्तायमू?"

"संगत ती न्हय-वो", मेरी म्हणालें. "तुमकां सांगचें नाका म्हण चिंतल्लें हांवे. जोन ब्यापटिसटाक्य सांगल्लें, तुमका सांगचें नाका म्हण. तुमचो राग जणा हांव...."

"कसली संगत?" देंकळ्याचो मांडो चिंवात्त विचारलें बेज्मीन. ताच्या मात्यार नवसागराचें कितें आसल्लें तें आतां देंवल्लें.

"त्या नारायण गुंटलाचो पूत, पन्ना आमचा पुताक क्लासिंत चिडायता खंय, कुल्काराचो पूत पाद्री-मादिंचे पांय धरून 'फ्री' शिक्ता म्हणता खंय...."

"हांव कुल्कार म्हण सगळो संसार जाणा मेरे", बेज्मी म्हणालो हासोन. "हो आमचो संसार, तो तांचो; तो बनावटी मरण पंडीत डोकटर म्हण आज लोकांनी मानला तर ताचो हुन्नर. ताच्या संसारांत आमचा तसल्यानीं रिगोंक पळेल्यार जांवचें हेंच. म्हजो पूत तर सर्कारी शाळेंत बर्ती जाल्लो, कोण कितेंच म्हणतेनांत..... आन्येक देंकळो आसावे कुंडल्यांत?"

"तुमकां समजाना," मेरी म्हणालें कुंडल्यांत दोय घालन एक देंकळो भायर काडून. "पन्ना म्हणता खंय, ते क्रेयोन, बण्णकड्डी व्हापार्न खिंचेंय चित्रा सोडायल्यार आपूण पिंजून घाल्तोलों म्हण. आज क्लासी भायर ताणे जोन ब्यापटिसटाचा बोंबलेक चिमटो काडलो आनी...." तें रडलेंच.

"हो भुर्ग्यांचो न्याय, मेरे!" बेज्मी म्हणालो. "पन्नक आमचा पुताचेर मोसोर, तितलेंच. आशें म्हणोन हिटलराक आपवंक जातावे? हे भुर्गे आज झगडतात फाल्यां राजी जातात. कंकनाडी मयदानार किर्कीट खेळनांत्वे ते? तूं वच तुजें काम कर. तुजे देंकळे खावन फाल्यां पोटांत खळकळना जाल्यार पुरो!"

"तुमी एक..." तें म्हणालें. चेर्को बण्णकड्डी हाडून आयला, तुमी कांय ताका इनाम दिलें? तो कांय ऐसकेंडी विचारिना..."

"पयलें कळीत आसल्लें तर बेक्रिंतलें बेण्णे बट्टर हाडतो ....

"न्हय-वो, कितले दीस थावन चेर्को परात्ता, तुमी लोरियेर थावन पायप देंवयताना आपणाक पळेजे म्हण, तुमचे सांगाता 'ऐसा ऐसा' म्हणाजे म्हण?"

"बेस-अबेस जालें!" व्हडल्यान हासलो बेज्मी.

"जालोच कुल्काराचो पूत इंजेर. आंब्याचा रुकार काजू जायनांत-गो. जांव, फाल्यां पोर्वां कंकनाडी मयदानार लोड देंववंक आसा, तवळ दाकयतां ताका. इसकोला थावन शीदा थंय

येंवदी, ताचे किर्कीट सांगातीय येंवदीत. पूण फाल्यांच ताका कांय सांगानाका..." एक देंक काडन बोटां लेंवित्त बेज्मी उटलो.

"कितें पळेवंक आसा खंय पायप देंवयताना? हूं तांतू उदक न्हय, आमचेंच रगात व्हाळल्लेपरीं जाता म्हाका...."

'कसलो सादो-भोळो म्हजो बेज्मी!' मनांतच फुकारिलागलें मेरी. 'रगात उदक कर्तेल्यांक तो बरो देव सांडून घालिना' .

दूसरयाच दिसा, कोणायकी सांगानाका म्हण मेरीन जोन ब्यापटिसटाक बेज्मीन दिल्ली भास सांगली. ताचें मुखमळ फुल्लें. तो सट्ट करून भितर गेलो आनी बण्णकड्डिचो कंर्डो घेवून भायर आयलो. तो जत्नेन पोत्यांत दवर्तेच आवयक पळेवन म्हणालो. "माय म्हाका एक ऐडिया आयल्या!"

"तो कंर्डो कित्याक वर्ताय-रे, पुता?" मेरी आकलासली. "तो पन्ना कांय वोडन घेत तर? तुज्या बोंबलेक पर्त्यान चिमटो काडीत तर?"

जोन ब्यापटिसट दोळे मिणकून हासलो.

"त्या पन्नाक बूद शिकवंक हांवे एक चापडी केल्या!" तो म्हणालो. "बाबाचे पायप येता पऱ्यांत हांव हो बोक्स भायर काडिना."

तीन दीस पाशार जाले.

ह्या तीन दिसानी इसकोल जातेच क्रिकेट खेळानासतानांच घरा आयिल्ल्या जोन ब्यापटिसटाक काफी फळार करुंक्य वेळ नातल्लो. आयिल्लोच एक पर्नो कोपिबूक घेवन कसलेंगी बरयतालो, बरयिल्लेंच बरयतालो.

"कितें-रे पुता?" मेरीन विचारलें. "तितलेंय मनेकेलस दिता तुका तुजी टीचर? सांजेचें-सकाळिंचें, हें कितें बरयताय तूं? ब्याट बोल सोडलेंय?"

जोन ब्यापटिसट हासतालो मात्र.

चोवत्या दिसाचे सकाळीं बेज्मीन पुताक लागीं आपयलो. "आज सांजेर एक वोडलो लोड कंकनाडी मयदानार देंववंक आसा-रे, पुता" तो म्हणालो. जोन ब्यापटिसटाच्या दोळ्यानीं काजुले चरले. "भारीच व्हड पायप. लोरी केदी आसा जाणांय? पायप देंववंक एक व्हडलें मेशीन येता...किरायन खंय. इसकोल जातेच तूं शिदा कंकनाडी मयदानाक ये; तुजे ईषट येतात तर येंवदीत. मारोग उतर्ताना चत्राय.... पायप देंवयल्या उपरांत तुमकां बोटाचा होटलांतली च्हा आनी गोळिबजे घेवन दितां...."

जोन ब्यापटिसटाचें आंग मिर्मिरलें.

निजायकी ती लोरी व्हडली जयत आसल्ली. आनी ताचेर आसल्ल्या पायपांचें गातऱ्य तसलेंच. पायपानीं भरल्ली लोरी मयदानाचेर येताना थोड्या कुल्कारानीं थंय क्रिकेट खेळोन आसल्ल्या भुर्ग्यांक पयस वचोंक सांगलें. ते एकाकडेन गुंपू करून रावले.

लोरी रावतेच बेज्मी सकयल उडलो आनी दोन बक्करानीं ह्या पंगडा सर्शीं आयलो. "आत्तां किरायन येता", तो म्हणालो जोन ब्यापटिसटाचे दोळे धरून. "तुमी किरायन कशी दिसता पळेवंक ना-मू? काम जांव, तुमकां सर्वांक हांव च्हा आनी गोळिबजे दितां". इतलें सांगून तो लोरीय सर्शीं धांवलो.

"जायत पप्पा, थ्यांक्यू पप्पा!" ताच्या पाटल्यान ताळो काडलो जोन ब्यापटिसटान.

पूण तें, बेज्मीक आयकालेना.

पंगडांत आसल्लो एकलो चलो वोमतो-उदारो पडोन म्हळ्ळेपरीं हासलो. "आतां कित्याक हासताय, पन्ना?" जोन ब्यापटिसटान ताचो कोल्लर धरलो. डोकटर नारायण गुंटलाचो पूत तो, पन्ना. "म्हज्या पप्पाक कुल्कार म्हणतालोय न्हय? आतां पळे, तो फोर्मेन!"

"देकून क्रेन म्हणच्या बदलाक किरायन म्हणता!" चिडायलें पन्नान. पंगडांतले हेर थोडे हासले. "हेंचगी पळेवंक तुंवे आमकां हांगासर हाडल्लेंय? आमी क्रिकेट पुणी खेळते आसल्ल्यांव. फ्रेंडस चल्यां आमीं, फोर्मेन खंय फोर्मेन. काल म्हणासर बाबा-मांय म्हणचो हो मेळकट आज पप्पा-माम्मा म्हणता...."

"रावा, रावा!" जोन ब्यापटिसटाचो ताळो कांप्तालो. "अळे, क्रेन आयलीच. म्हाका पप्पा-मम्माचें नांव इंगलिशान बरवंक येता. हांवे मिस्सालागीं शिकोन दीस आनी रात परयाकटीस केलां."

"आनी तीं नांवां खंय बरयतोलोय?" पन्नान विचारलें."सर्वांक दिसचे कडेन"

"सोड पन्ना," म्हणाले थोडे. "हाका खूश करुंक पुणी राव्यां. क्रेन चलंवची हांवेंय पळेवंक ना; आतां क्रिकेट खेळ्यां म्हळ्यार गेम आकेर करुंक जांवचोना."

आनी ते रावले.

आपणाक ताणी केल्लीं खेळकुळां विस्रोन कामगिरी पळेवंक पडलो जोन ब्यापटिसट. आपल्या बापयन दिल्ल्या इसाऱ्यां प्रकार क्रेनिचो चालक लोरियेंतले पायप उकल्तालो आनी मयदानाचेर एका आट्टळगेपरीं मांदून दवर्तालो. हेर कामागार कुमक कर्ताले. हऱ्येक पावटीं क्रेनिचो हात लोंकडाच्या सरियेनी बांदल्ल्या पायपाक लोरियेंतलो उकलन अट्टलेर दवर्ताना जोन ब्यापटिसटाचें काळीज चडीत उडकी मार्तालें. खंय, सरियो तुटतीत तर? माम्मी येनातल्ली बरें जालें.

सुमार दोन घंट्या उपरांत काम संप्ताना मयदानार तीन्सांज देंवल्ली पूण सर्व स्पश्ट दिसतालें.

बेज्मीन क्रेनिच्या ड्रायवरालागचें उदक मागून घेतलें आनी चेंबू घेवन्च तो हांचे सर्शीं आयलो. "भूक लागल्यागी? कशें दिसलें काम-रे बाबा? आशा भागली तुजी? आज किरायन पळेवंक मेळ्ळी तुका.... तुमीं हांगाच रावा...हांव आनी हेर वो थंय वचोन धा मिनुटां भितर येतांव. कितें म्हणतात? मागीर भोटाच्या होटलांत गोळिबजे...."

"आमीं चल्यां!" म्हणालो पन्ना. "आनी कितें करुंक आसा हांगासर? कोणाक जाय खंय ते गोळिबजे? माम्मीन माल्पुरी करून दवरल्या आसतेली.... काळोक पडोन आयलो."

तांचा जापीक राकानासतां बेज्मी गेलो जाल्ल्यान जोन ब्यापटिसटाक आपली चापडी खेळोंक आयिन्न जालें.

ताणे आपल्या बेगाथावन बण्णकड्डिंचो बोक्स बायर काडलो.

तो बोक्स पन्नाच्या नाका पंदाक धरून तो म्हणालो. "म्हाका हो बोक्स मेळल्ल्याक तुका मोसोर जालो न्हय? म्हज्या बोंबलेक तुंवें चिमटे काडलेय आनी हे क्रेयोन व्हापार्न कसलेंय सोडयल्यार म्हाका 'किल्ल' कर्तां म्हणालोय..."

"देकून आतां कितें कर्ताय?" पन्नान ताचो हात पयस लोटलो. "आतां मार्गार ड्रोयिंग कर्ताय?"

"कर्तां, कर्तां!" बोबाटलो जोन ब्यापटिसट हेर कितें म्हणचे म्हळ्ळें कळानासतां. "सगळ्या कंकनाडिंत बरवन घाल्तां. तूं म्हाका कसो किल्ल कर्ताय पळेतां. आत्तां म्हजो पप्पा येता आनी तुंवे त्या क्रेन ड्रायवराचे मसल्स पळेल्याय? तो म्हज्या पप्पाचो ईषट!"

"व्हडलो ग्यास्पोट खिंचो!" पन्नान ताका पाटीं लोटलो. "आमीं बरयान क्रिकेट खेळते आसल्ल्यांव, पूण हाणे आमचो गेम पाड केलो. हाचो बापूय फोर्मेन खंय, कुल्कार खंचो. आतां क्रेनिच्या ड्रायवराक हाडून आयलो. म्हजो बापूय जाल्यार डोकटर, डोकटर नारायण गुंटला..... आतां क्रेयोन घेवून आयला. आवय-बापयचीं नांवां ताका इंगलिशान बरवंक येतात खंय. पोर पऱ्यांत 'अदू इदू, मासटराची कासटी धू' म्हण कन्नडा मिडियामांत रंदितालो."

जोन ब्याप्तिसटान बापय गेल्ल्या कुशीन पळेलें पूण तो वेग्गिंच्याक येंवचोना म्हळ्ळें ताका कळीत आसल्लें. तो सांगात्यांक घेवन नवटांग मारुंक गेल्लो.

"तुका जाय तर तुज्या पप्पा माम्माचीं नांवां त्या पायपांचेर बरय, स्टुपीड फेलो!" म्हणालो पन्ना. "तुका धयर आसल्यार तुजे क्रेयोन घे, पायपाची आट्टळगी चड आनी वयल्या पायपांचेर तांची नांवा बरय; जाय तर तुजेंय बरय. हांव कांय करिना. सगळ्या कंकनाडिंत तुमचीं नांवां दिसुंदीत, सोबोंदीत."

हें म्हज्यान जायना म्हण चिंताय, पन्ना?" जोन ब्यापटिसटान दोन मेटां मुकार काडून त्या पायपांचे आट्टळगेक पळेलें. लागसार्च पायप हाडल्ली लोरी आनी ते देंवयिल्ली क्रेन उबी आसल्ली.

"हांव कांय चिंतिना!" म्हणालो पन्ना. ताचे हेर सांगाती हासले.

"पळेयां तुजें इंगलीश आनी तुज्या बण्णकड्डिंची सोभाय!".

जोन ब्यापटिसटान पर्त्यान पायपांच्या आट्टळगेक पळेलें. पायप मांडल्ली रीत पळेताना एक निसण उबारल्लें परीं दिसतालें. निसण चडोंक खंचे व्हडले कषट?

हातांत बण्णकड्डिंचो बोक्स घेवन तो शिदा पायपांचे आट्टळगे कुशीन गेलो. आनी बक्कार पिंजून म्हळ्ळेबरीं ताणे पयल्या हंताचेर पांय दवरले. पन्नाच्या पंगडान बोब मारली. "कम ओन ग्यास्पोट, अनिकी चार हंतां आसात, कम ओन".

दुस्रें हंत

तिस्रें...

मायदानार आसल्ल्या कोणे बावड्यान बोब मारली. "तुका नाकारे अपा हो खेळ. देंव पेल्यान. त्या बेज्मिच्या पुताक जालां तरी कितें?"

चवतें हंत; चिक्केसे पांय निसरलो, पूण तरी कितें.

आनी आतां पांचवें हंत!

आपणाक सांबाळन ताणे एक मेट चडयलें, आनी उपरांत दुस्रें.

पाटीं गुंवोन पळेताना ताका चिक्केसे तकली घुंवल्लेपरीं जालें.

"कम ओन", ताका पन्नाचो ताळो अयकालो. "आतां बरय पळेयां"!

पांचव्या हंतार तीनच पायप निदायिल्ले. तांचे पयकीं सर्वांक दिसचो(म्हणजे रसत्याक फूड करून आसचो) पायप विंचून ताणे आपल्या बण्णकड्डिंचो बोक्स उसयलो. आनी सर्वा पयकी रंगाळ दिसचो क्रेयोन भायर काडलो. पन्नाचेर दीषट घालून तो हासलो आनी ताणे बरवंक सुरू केलें.

"बेंजमीन कामील पिंटो"

आतां मांयचे नांव. चवत्या हंतावयल्या पायपाचेर आडवीं मेटां काडून तो पांचव्याचा मदगात आयलो आनी ताणे बरयलें.

"मेरी मागदेलीन पिंटो"

पन्नाच्यो कुकाऱ्यो ताका आयकाल्यो.

"आतां तुजेंच नांव बरयरे ग्यास्पोट!"

तांचे गुमान करिनासतां जोन ब्यापटिसट पायपाचे देगेक गेलो.

व्हय, तो जिकल्लो.

ताणे नवोच एक क्रेयोन विंचलो आनी बरयलें आपलेंच नांव.

"जोन ब्यापटिसट पिंटो"

जयताचो हासो घेवन तो पन्नाच्या पंगडाक पळेवंक म्हण घुंवताना.... ताच्या पांय बंदल्या पायपाक रोदां उदेल्लेपरीं ताका भगलें.

तो पायप घुंवतालो? पयशिल्यान ताका साताट बोबो आयकाल्यो "ए देवा, कितें जालें?"

जोन ब्यापटिसटाक कसलोगी डंडळो आवाज आयकालो आनी आपले पांय कसल्यागी गाण्यांत शिर्काल्लेपरीं ताका भगलें.....

गूंड खणियो खोंडून तांतू निदांवचे पऱ्यांत, त्या सांजेर डंडळोन पडल्ले पायप थंयच तसेच्च आसल्ले.

त्या पयकी एकाचेर दोन नांवां दिसतालीं.

बेंजमीन कामील पिंटो

मेरी मागदेलीन पिंटो

इंगलीश वाचुंक येतेल्यानीं तीं वाचलीं.

त्याच्च पायपाच्या तीसरया भागांत कसलेंगी लिकून आसल्लें पूण ताचेर एक व्हड तांबडें खत आसल्लें आनी तें बरप माज्वायतालें.

पायप खणियेंत देंवंवच्या वेळार, तांबडें आसल्लें तें खत काळबाणेक बदलोन आयिल्लें.

बण्णकड्डिंचो कंर्डो थंयच पडोन उरल्लो तो कोणेंय विंचलोना.

===ooo===

# २. मोतीक एक पाटो

त्या घरा थावन ताका खोट पडताना तो व्हरुंक सकल्लो फकत्त एक वसत ताचें सर्वस्व - तें चिंदकर भाणशिरें. आतां असकत जावन येंवच्या पावसाळ्यांत त्या बाणसीरयान ताका ऊब दिल्ली. ताचें नशीब बरें आसल्लें कित्याक तो थंड थंड पावसाळ आकेर जाल्लो. तवळ पऱ्यांत ताका बिडार दिल्ली, खाण दिल्ली आनी थोडे पावटीं मोवाळाय सयत दाकयिल्ली स्त्री, तिच्या पतीन ताका खोट मार्न घरांतलो भायर घाल्ताना असहायक जावन हुंबरार उबी जाल्ली.

"त्या मर्कट सुण्याक घरा भितर कित्याक रीग दिल्लीय ?" बोबाटलो तो तिका पळेवन. 'तीन महिनेभर तुज्यान राकोंक जालेना? तुजेखातीर कसली माणका हांवे हाडल्यांत पळे...वच, वच...म्हज्या जीपांत तीं आसात!"

तीन महिन्या' दीं कसो तो तिच्या दारार पावलो म्हळ्ळें ताच्या उडासांत नातल्लें. ती जावन आसल्ली रात कठीण पावसाची, थंड पूण बलिषट वारया तुफानाची. एक सासण पऱ्यांत ताणे दारालागीं कुंय्यो घाल्या उपरांत तें दार उग्तें जालें आनी भितरली ऊब ताका वेंगिलागली. ह्या सर्गाळ सुकांत तो उप्येताना ताची दीषट तिचेर पडली. दीग जिवाची आनी गंभीर जिनोसाची स्त्री ती. "हो भिर्मती"! ती उदगारली आनी एकाच्छाणे बाग्वोन तिणे ताका उकल्लो. "तुजें नांव कितें?" ती आपल्या हातानीं ताका वयर पंदा लोळायलागली. "हो, तूं एक दादलो पेटो" ती म्हणाली समादानान. तिणे ताका कुजनाक व्हावयलो. "तुका खंयच्या नांवान आपंव?" ती गुणगुणली. मोतियांपरीं दिसचे उदका थेंबे तुज्या नाकार आसात" ती म्हणाली एका बाणसीरयान ताका पुसित्त. "बराबर तुका हांव मोती म्हणंच आपयतां".

तेंच बाणसिरें आतां ताचें सर्वस्व जाल्लें.

तिणे ताका घरा भितर घेतल्ल्या उपरांत पाशार जाल्ल्या तीन महिन्यानीं ताका जाय तें मेळ्ळें. ह्या आवदेंत त्या घरा विश्यांत थोडें तो जाणा जालो. आनी आपणा विश्यांत्य-आपणाचें नांव मोती म्हळ्ळें ताका कळीत जालें.

तिचो पती वर्सांत चडावत महिने एसटेटांत आसतालो जाल्ल्यान ती एका चाकर्नी सांगाता रावताली. ती चाकर्न मोतीक पसंद करिनातली तें तिच्या नडतेंत कळीत जातालें. पूण मोतीन गमन केलेंना. ताचें शिमटेक कंर्डे बांदून तुकलांवचीं पार्पोळ भुर्गीं त्या घरांत नातल्लीं. घर्चे धनिनीक मनजातिंचेर कठीण मोग. तिचेलागीं एक पर्शियन माजार, एक जोडी लवबर्डस आनी दोन बडचीस आसल्ल्यो. पावानातल्याक तिच्या रांदपा कुडाच्या जनेलार ठिकाणो नातल्लीं सात आट माज्रां केदळाय आसतालीं.

महंतनांतल्यो तिच्यो मित्रिण्यो सराग येताल्यो आनी सांगाता मेळोन तीं इस्पिटां खेळतालीं. "हें सुण्या पील तुका खंय मेळ्ळें?" तीं उदगार्तालीं. "ताची शिमटी पळे नीट जाल्या मेणाचे वातिपरीं, खंडीत तुजो पतिराय हाका घरांत दवरिसोना". ह्या तिर्पान ताचे थंय किरलाल्लें भें आतां रुतां जाल्लें.

ती रात थंडियेची.

ताच्या मुसकराचेर दार दांपल्ल्या थोड्या वेळा उपरांत जिपांत आसल्ल्या नव्या माणकांक भितर घेंवचो आवाज ताका आयकालो. तांका देकोंक तो सकलोना. पूण तें द्रश्य ताका गम्लें. हुनोनी दुदाचें कोप आनी हिंवांत गुटली जावन निदोंक घरांतलो ऊब कोन्सो. मनशानीं स्वाभाविकपणी रडचेपरीं ताका रडोंक जाय आसलें पूण कसें रडचें म्हण ताका कळीत नातल्लें.

अंत्य नातल्लेपरीं दिसचे रातीक अक्रेक तरी अंत्य आयलें आनी सकाळ उदेलो आनी सकाळ येताना हिंवान घांटेवन गेल्ली आपणाचीं कूड वोडन घेवन तो गेटी पऱ्यांत गेलो, भर्वश्याचें एक कीर्ण घेवन. पूण माणकांनीं ताचो जागो घेतल्लो-जीप रावंवचे पाकेटी पंदाक रट्टाच्या एका व्हड कंड्यांत तीं रायाळ रितीर बसोन आसल्लीं. खरें तीं सोभीत आसल्लीं, खरेंच तीं माणकां जावनासल्लीं.

तीं ताका पिळपिळ्या दोळ्यानीं पळेतालीं. पूण ताणे कर्च्या कुंय कुंय आवाजाक ताणी कसलीय जाप दिलिना. तितलीं रायाळ तीं जावनासल्लीं. तितल्यार दार उग्तें जालें आनी 'ती' उदेली. फांट्रेल्ले कुडिंत आसल्ल्या बळान ताणे आपली शिमटी हालयली.

"म्हाका माफ कर मोती" ती म्हणाली दयाळाय भरल्ल्या पूण खचीत आसल्ल्या ताळ्यान. "काल्चे रातीं तूं हितलांतच आसल्लोय म्हण हांव जाणा, पूण, पुरो तें पुरो! तुका आस्रो दिल्ले खातीर काल्चे रातीं हांवे सोसल्लें पुरो" तिणे ताका बोट जोकलें, बंदूक जोकल्लेपरीं, सुचावन - वच हांगा थावन. ताचें मुखमळ बावलें शिमटी मुर्गटली. भुकेचें आक्रमण जाताना ताचे पाय आपापिंच कचरयाच्या डब्ब्या कूशीन पर्ताले.

कसली घाण!

ताच्यान पात्येवंक जालेंना. इतल्या मजबूत बंगल्यानीं इतली घाण उबजंवची कुसाडाय आसा? बंगल्यांतलो कचरो ह्या परीं घाणता तर, बंगल्या भितर?

कचरयाच्या डब्ब्यांत ताका वोबेचो एक चोबको मेळ्ळो आनी तो, त्या दिसाचो ग्रास जालो. दीस आसो सुरू जालो पूण आकेर जावंक सभार दीस आसल्ले.

तरिपूण... तरिपूण मोती म्हळ्ळें सुणे वांचलें आनी बाळवालें संसार आनी सेजार चिंतल्लेपरीं वायट नातल्लें. सर्व्य ताका इल्लेशें पुणी खाण उडयताले; भोसिभर न्हय तरी एक ऊंडी. सभार पेटेव आसल्ले ताच्या भंवतीं, किंट्यो किरांट नातल्ले, सुशिसत अनी नितळ पेटे, आनी हऱ्येकाच्या गोमट्यांत उत्तीम चामड्याचो पाटो आसल्लो. ते कारानीं जिपानीं भंवताले, तांच्या धन्या सांगाता, भायर घालून गोमटी, सेवुंक वारें!.

पूण कित्याक, कित्याक हांवे मात्र कचरया डब्ब्यांतलें उसटें खायजे? कित्याक ताच्या पोटाचेर मात किंट्यो किरांट्यो आसल्ल्यो? तो घोंकुंक सक्तालो, धांवोंक सक्तालो आनी हेर पेट्यांपरिंच खेळोंक सक्तालो. तरिपूण हो भेदबाव कित्याक? कोणंच ताका कारांत बसयना. कोण्य ताची पाट पोशेना...? तो चिंतुंक पडलो.

आनी तवळ ताका गम्लें.

व्हय, ताच्या गळ्यांत पाटो नातल्लो..!

आनाथ तो, गळ्याक पाटो नातल्यार ताका विळासचना.

मोतीक जाय एक पाटो.

तो आशेलो, लालेलो, भर्वासलो.

हेच्च परीं दीस उदेले आनी बुडले आनी काळ बदलालो. वऱ्यांत शिंवत्या-आबोल्यांचो पर्मळ आसल्लो आनी सगळ्या' नितल्यान स्वाभावीक रितीर खडप निर्मळाय चल्ली. ताचे कुडिंत्य नवो हुरूप आयिल्लो. नविंच्च भगणा, तीक्ष्ण पूण मोव. त्या परिसरांत आसचे सर्व पेटे एकाचपाणे एकामेकाचे ईषट जाले. मंतनांतलीं पेटे माणका सयत ताचे सर्शीं येवन आंग घषटी लागलीं. हें तांच्या धनियांक रुचलेनां. आनी ते पेट्यापरिंच ताका गुर्केवंक लागले. सगळ्यानितल्यान संतोस आनी उमाळे आसल्ले. पंगड पंगड करून सर्व पेटे रसत्यार दांवताले, कसल्याचीच फिकीर नासतां.

ते स्त्रीयेच्या घरांत पाशार केल्ल्या तीन महिन्यांचे आवदे उपरांत आतां आयिल्ले हे दीसच सुकाळ जाल्ले. तर्पूण गोमट्याक एक पाटो नासतां, आपूण आपूर्ण म्हण ताका भग्तालें. एका पाट्या खातीर तो कितेंय करुंक तयार जाल्लो.

तो जावनासल्लो एक सोभीत सकाळ. पेट्यांचो पंगड नव्याच्च हुरुपान वयर सकयल धांवतालो. खुशेन खर्शेतालो आनी पुरासणेन फेंडेतालो. एकाच्चाणे व्हड एका घुडापरीं दिसचें वाहन येवन चार मारोग गडसुंच्याकडे उभे जालें. थंयसर देंवल्लें मौन भिरांकूळ, सक्कड पेटे खिणभर थंड जाले, दुबावीत जाले आनी हुंकोंक लागले. उपरांत कसल्यागी एका तूर्त हिशारयाक मांदचेपरीं चारांयी कुशिनीं धांवोन मायाक जाले.

मोती एकलोच्च उरलो. तो स्थिमिताय नासतां कांप्तालो, खर्शेतालो आनी ताच्या वोंटा इड्यानीं फेंड आसल्लो. त्या वाहना थावन दोग जण भायर आयले. तांच्या हातानीं लांब तेंकड्यो आसल्ल्यो आनी तेंकड्याच्या तुद्येर उज्वाळचीं बोळीं आसल्लीं-पेट्यांच्या गोमट्याक आसच्या पाट्यापरीं!.

पयलें भियान फांट्रेल्लो मोती आतां सुडाळ जालो. आक्रेक तरी तचे खातीर पाटो घेवन कोण तरी आयिल्ले. कित्याक तुमी तितल्या चत्रायेन म्हजेसर्शी येतात- मोतीक विचारुंक जाय आसलें. तो हालानासतां रावलो आपली गोमटी उबार्न, त्या पाट्याक येवकार करून.

व्हय, तो पाटो ताच्या गोमट्या भंवारीं रेवडालो... "विचित्र"! उदगारलो पेट्यांक धर्चो एकलो आपल्या सांगात्यालागीं. " हे सुणे बिल्कूल दडबडलें ना". मोतिच्या कुडिंतल्यान निमाणो शिर्शिरो पाशार जातेच्च ताचे "पेटेय रडोंक शिकल्लेपरीं दिसतात"! म्हणालो दुस्रो. "तुजो पास आंर्दताना त्या भिर्मत दोळ्यानीं दुकां पुटलीं आनी ताच्या मुखमळार मानवीय भावन उदेलें!"

===000===

# ३. कागदाची स्त्री

पयलें ताचें गमन वोडल्लें त्या काळ्याच फळपळीत कारान. सदांयी सकाळीं तें कार त्या ट्राफीक सिग्नला सर्शीं उभें जातालें. ताची सिग्नेल ती सक्तिवंत, आकस्मीत आनी विचित्र. त्या ट्राफीक सिग्नेलाची यांत्रीक घडावळ ताका परिपूर्ण समजोंकच नातल्ली. तऱ्यी ती सक्तेवंत सिग्नेल. ती तांबडी जाताना सर्व वाहनां उभीं जातालीं. ताका ताचो दिस्पडतो ग्रास दितालीं; त्या वाहनांतल्यांक तो दैनीक पत्रां विक्तालो.

ह्या काळ्या काराचा चालकान आपणाक जाय जाल्ल्या पत्राचें नांव उचारलें, आनीं पत्रां विकचा बुर्ग्यान तें ताका काडून दिलें तवळ ती ताचा गमनाक आयली. काराच्ये पाटले सिटीर ती बोसोन आसल्ली. चालकान तें पत्र घेतलें आनीं एक नोट ताका दिलो. "सुटे पयशे तुवें दवऱ्येत!" तो म्हणालो. बुर्ग्यान ते सुटे पोयशे दवरले आनीं काळजांत तिचें रुपणेंयी.

सुंदर ती जावनासल्ली, उत्रिक्त आनीं विचित्र. बुर्ग्याची तेरा वर्सांची मत विवंद नातल्ल्या एक्ये रितीर, एक्ये घुस्पडीत रितीन तिचेर आकर्शीत जाल्ली. तिचें मुखमळ धोवेंच, मेजून केल्ल्या बायलें मुखमळा परीं तिचें हर्शें..... पळेताना कसल्यागी पर्क्या भोगणांचे बुळबुळे ताचा तर्न्या कुडिंतल्यान धांवताले. काळीच मुसतायकी ती न्हेसल्ली; दोळ्यांक काळिंच चषमा, एका थराची निगूडता तिच्ये भंवतीं धांवताले. काळीच मुसतायकी ती नेसल्ली; दोळ्यांक काळिंच चेषमा, एका थराची निगूडता तिच्ये भोंवतीं आसल्ली.

थापड मार्चो हात आनीं मोगान पोशेंवचो हात हांचे मधलें फरक जाणा जांवच्ये प्रायेक तो पावताना एका जिन्सांचा व्यापारी संगीं तो काम कर्तालो. हेणेतेणे पोटल्यो व्हावंवच्यो, दुखान साफ कर्चें इत्यादी तो कर्तालो. ह्या वावराचें भातें जावन हऱ्येक्ये सांजेर एक चोबको 'चीज' आनी फुंर्गेल्लो उंडो मेळतालो. दुकानांतच निदोंक जागोयी ताका आसल्लो. दीस पाशार जातां जातां संसारांत आवय-बापूय, भाव-भयणी म्हळ्ळो वसतू आसात म्हण ताका कळीत जायीत आयलें. ह्यो वसतू सुंदर जावनासात, एकलो ताका सांगालागलो. एकलो, जाका ह्यो 'वसतू' एका तेंपार आसल्ल्यो पूण आतां नातल्ल्यो.

ह्या बुर्ग्याक त्यो प्रारंभार्च नातल्ल्यो.

तऱ्यी एक विचित्र संगत ताचा तर्न्या गमनाक गेल्ली. आवय-बापूय, भाव-भयणी आसल्ल्यो वेक्ती, कुटम आसल्ल्यो व्यक्ती त्या जिन्सांचा दुकानांत धाराळ येताल्यो. तांच्या मुखमळार संतोस दिसानातल्लो. समधान झळकानातल्लें. दुकानांतल्या वसतुंची म्हार्गाय, रांद्वय, फळां इत्यादिंचें मोल त्यो व्यक्ती चर्चे कर्ताल्यो. पुर्पुर्ताल्यो आनी दुकानदारालागीं वार्जीक कर्ताल्यो. संसारांतली खंचियी वसत तांकां संपूर्ण समधान दिंवच्ये परीं दिसानातल्ली.

बुर्गो गुस्पडलो.

सर्वांक सूक आनी समधान दिंवची एक वसत आसाजाय म्हळ्ळो एक अपूर्ण आनी घुस्पडीत वाद ताचेथंय उदेलो, ह्येच घुस्पडाये मधें ताणे दैनीक पत्रां विकचें काम धरलें.

आनी आतां, काळ्या कारांतल्ये स्त्रीयेक पळेल्ल्याफरा ताचे थंय सुप्त आसल्ली घुस्पड स्वषट रूप घेवंक लागली. ती स्त्री जावनासल्ली जाप ताच्ये घुस्पडायेक; वकात ताच्ये तर्ने मतीक.

ती रात ताणे निदेविणेंच पाशार केली.

दूसऱ्ये सकाळीं तें काळें कार आयलें. सिग्नेल तांबडी जाल्ल्यान रावलें. काराचो चालक दैनीक पत्राक हात वोड्डायलागलो. पूण बुर्ग्यान ताचें गुमान केलेंना. पत्र घेवन तो शीदा तिच्ये सर्शीं गेलो.

तिणे तें घेतलें ना.

ताच्ये कुशीन घुंवोन सयत पळेलेंना. काळ्या चेषमां पाटल्यान तिचे दोळे 'धरुंक' तो उर्डालो. पूण व्यर्थ.

सिग्नेल बदलाताना चालकान पाटीं घुंवोन पत्र झोंपय मारून घेतलें आनी एक नाणें त्या बुर्ग्याक उडयलें.

कार थंयसर थावन धांवलें.

आपणा भितर कसलेंगी एक 'फटक' करून तुटलेल्ये परीं त्या बुर्ग्याक भोगलें. कसलेंगी भोगाप, घडसून येंवचो एक गांच, स्वषट जायीत येंवचें एक पिंतूर नास जाल्लें. त्ये स्त्रीयेन ताचें कुसकूट गमन करुंक नातल्लें.

दूसऱ्ये सकाळीं ती आयली.

आनी तीसरया, चोवत्या.... तऱ्ही तिचें गमन जिकुंक तो सकलोना. कसलोच जीव तिच्ये थंय नातल्लो. निसतेज ती, पत्रांनी छापून येंवचा तस्वीऱ्यें परीं, सुंदर तस्वीऱ्यो त्यो पूण निसतेज, व्हय ती जावनासल्ली कागदाची स्त्री.

कागदाची स्त्री.

दीस पाशार जाले.

आज ताचा कुडिंत नवो हुरूप आसल्लो. ताणे दैनीक पत्रां विकचा संस्थ्याचांनी ताका निळसें समवसत्र दिल्लें. सुंदर युनिफोर्म तें. पितुळेचे थळथळीत बुतांव ताचेर आसल्ले. आज पुण्यी... तो भर्वसलो.

तें काळें कार घुस्पडेन म्हळ्ळ्येपरीं सिग्नेला सर्शीं एकटांय जाल्ल्या जम्या सर्शीं उभें जालें.

"कितें संगत?" ती विचारिलागली चालकालागीं, "ही सदांची सिग्नेल न्हंयगी?" तिचो ताळो यांत्रीक जावनासल्लो.

"व्हय" जाप दिली चालकान, "ही सिग्नेल आज पाड जाल्या, पावानातल्ल्याक हांगासर एक आवघड्यी घडलां!".

"आवघड?" ती विचारी, "कोण्यी मेला?" तिचा ताळ्यांत विधिची साय आसल्ली.

"व्हय" चालक आपली गोमटी लांब करिलागलो."

"देवा! पत्रां विकचो बुर्गो!" ताचा ताळ्यांत आकांत आसल्लो.

"तो बुर्गो?" ती म्हणाली.

"जो म्हजा हातांनी पत्रां चेपुंक पळेतालो?"

"व्हय तोच!"

तिणे नीळ स्वास सेवलो. तिचो हासो जावनासल्ल्यो मटव्यो.

"असल्या संदर्भांनी" ती म्हणाली पोकोळ ताळ्यान, "म्हजा दोळ्यांची दीषट उबाशें केल्ल्या देवाक हांव अर्गां दितां. चींत तूं, कितें म्हाका आज भोग्तें आसल्लें काल पळेयिल्लो बुर्गो आज मोरोन पडताना?"

चालकान भुजां हालयलीं आनी येदोळच थंयसर हाजर जाल्ल्या दूसरया चल्या थावन दैनीक पत्र घेवंक लागलो.

"तऱ्ही एक संगत म्हाका समजाना" ती म्हणाली कार चालू जाताना.

"म्हजें गमन वोडचें प्रयतन तो बुर्गो कित्याक कर्तालो जाव्येत?"

*** ooo ***

# ४. एक कोप हुनोनी कोफी

आपणें आतां रांदपाच्या कुडाक वचाजे म्हळ्ळीं तिचीं चिंत्नां तिच्या पाटिच्या कण्यांतल्यान भिरांतेचो शिर्शिरो धाडिलागलीं. घरांत त्ये वेळीं कोणंच नातल्लीं पूण तिका अवश्य जावन एक तांबलेर हुनोनी काफी जाय आसल्ली.

"एक कप होनोनी कोफी" अशें तिणें म्हळ्ळें तर तिचो पूत खूश जातो आसल्लो. ती हासली आनी अशें कर्ताना तिचीं मातारीं हाडां कटकटलीं अनी तिचें पोट त्या काफियेच्या घोटाक लालेलें.

"एक कप कोनुनी कोफी!" आधुनीक घर आनी आधुनीक उत्रांच तिणे वापारिजे. एक सुसज्जीत, आधुनीक रांदपाकूड. "कसलेच वांदेनांत!" तिच्या पुतान म्हळ्ळें. "एक स्वीच दांब. एक फिर्की घुंवडाय." आतां हे सर्व तिणेंच करुंक आसलें.

पावस!

अखरेक तरी पावस आयिल्लो. बळिश्ट शिंवोरां पाटल्यान शिंवोर; केदळायी मुसकेल्लें मोळाब. थंड थंड व्हारें. पावसाक ती वळकताली पूण ह्या, तिच्या पुतान बांदलेल्या घरांत हो तिचो पयलो पावसाळ. सर्व एचाकाणे घडल्लें. तिणें कितेंयी चिंतचे फुडेंच तिच्या पुताच्या उत्रांनी तिका तिच्या बिळांतलें भायर वोडल्लें. "हें आमचें नवें बिडार" तो म्हणालो. बिडार? कोंक्रेटिचें हें राक्कोस बांदप, एका फिर्केच्या घुंवडेन जिवंत जांवचें हें बांदप, एक बिडार?

अन्येक हासो गर्जेचो आनी ती हासली. असल्या एका दोनपारां, असल्या सभार दोनपारांनी तिणे तांबलेरा पाटल्यान तांबलेर काफी सेवल्ली.. तवळ तिचो दादलो जिवंत आसल्लो. कारबारी मानाय, कारबारी मानाय. रांदणिंत, चटपट्या आवाजासंगीं झळच्या लांकडांवयर मातियेच्या बुडकुल्यांत बुळबुळची काफी... आनी ते, तांच्या हातां ताळव्यांक ऊब दिंवचे तांबलेर. कारबारी मनीस, तिचो दादलो. तेग पूत ताणे तिका दिल्ले. पयलो, बेवड्यापणांत खिरोन आळवालो. दुस्रो बस्स आवघडांत चेंचोन गेलो. हीं दोण मर्णां तिच्या दादल्याक सांगाती करुंक व्हरून गेलीं. तिच्या वांट्याक उरलो तिचो तिस्रो पूत आनी तिचें मातियेच्या वोणदिंचें बिडार.

आनी तवळ तिणे लगाम आपणाच्या हातीं घेतलो. हेर उपाव नातल्लो. पूण धांव जावनासल्ली इतली तेज कित्या एका दिसा तिचो तिस्रो पूत येवून अपूण खंचागी एका गलफ राश्ट्राक वेतां म्हण तिका कळयतना तिणे दोळे उग्ते केले. "आनी मुकार मातियेच्यो वोणदिनांत!" तो म्हणालो. "गायरांक, बोकऱ्यांक आनी दुक्रांक पोसचेंयी ना. आमच्या सपणांचें घर अमी बांदतेल्यांव!"

पूण तिणे कसलिंच सपणां पळेवंक नातल्लीं.

आनी तो, तिचो तिस्रो चल्लो.

लांकडांची रांदणी आनी मातियेचें घर मात्र तिच्ये संगीं उरलें. तिका ताचीं पत्रां येतालीं आनी ती सराग जवाब लिक्ताली, कोवेंताच्या एका माद्री मुकांत्र. ह्या कोवेंताक सहज जावन तिचो तिस्रो धाराळ दान दितालो. तिच्या फिर्गजेचो विगार सयत, तिणे शेंबरांचो नोट डब्ब्यांत गळयिल्ल्या आयताराथावन तिचेर मोवाळ्ळो. व्हय, तिचें आंगण तयार जातालें.

उपरांत आयली तिची सून.

सोबायेची पुतळी. आफिसांत काम कर्ची, खडप आनी सांगाताच सुंदर. मातियेच्या बिडारांत रिग्ताना सुनेन वोंट वोळायिल्ले. आनी तवळ तिचो तिस्रो म्हणालो. "एक पावटीं आमचें बिडार उबें जाल्लेंच ह्यो मातियेच्यो वोणदी आमीं ध्वंस करुयां आनी सांगाताच सर्व आदले कोडू उडास!" तिणे कांयिंच म्हळें ना.

तिका कांयिंच नातल्लें उचारोंक.

उपरांत आयलें तें कोंक्रेटिचें रक्कोस बांदप. तिच्या मातियेच्या वोणदिंक लागोन म्हळ्ळेपरिंच हो राक्कोस किरलोन वाडोन येतालो. बांदपाच्या कामाचो आवाज निवाना, धूळ बसून येताना थोड्या घदियांचें अस्थीर मौन थंयसर उदेलें. थोड्या घडियांचें अस्थीर मौन. उपरांत आयले थोडे असकत आवाज. तिचें मातियेचें बिडार "ते" दर्णी समा कर्तालें. हाची धूळयी बसून येताना तिचो तिस्रो तिका दिसलो.

अवशेशां मदें हर्द्यार हात बांदून उबो आसचो. ताची दीश्ट सर्गात उत्रोन पळेताळी. जयत आनी घमंड ताच्या मुकमळार राज कर्तालें.

तिणेंयी एका तेंपार वयर पळेयिल्लें. तिच्या पतिच्या मर्णा-पेट भाड्याक हाडल्ल्या खांदपिंच्या खांदार चडोन सिमेतरीक भायर सर्ताना तिणेंयी वयर पळेयिल्लें, अपल्या रचणाराक. तिचे भितरलो तो क्रोद, असहयक आनी मौन आक्रंदन जावन उटताना तिणे वयर पळयिल्लें. "ह्या नंतर सर्वेस्परा! ह्या नंतर सर्व म्हजेर भेजों!"

हूं! आतां तिका काफी जाय आसली.

रांदपाचें कूड निजायकी सुसज्जीत आसल्लें. थोडें खत्कतें उदक, एक चमच ईनस्टंट कोफी, दूद आनी साकर." तोपलें तीक मेळ्ळें अनी तिणे उदक भरलें. लांकडांची रांदणी थंयसर नातल्ली बगर फळफळीत कुक्किंग रेंज. उज्याची सर्व सकत त्या तांबड्या सिलिंडरांत आसल्ली. तिणे तोपलें कुक्किंक रेंजार दवरलें आनी एक फिर्की घुंवडायली. "एक स्वीच दांब, एक फिर्की घुंवडाय". पुताचीं उत्रां.

पूण काडियां पेट खंय आसा?

तिच्या मातियेच्या घरांत सर्व हातांच्या परिदे बितरच आसल्लें. माल्दिसांव पडों! ती मनांतच बोबाटली. तूं आनी तुजें बिडार. तूं आनी तुजो पयसो. खंय आसल्लें हें सर्व तुजे भाव पिड्डुयार जाताना. आनी तुजो बापय बरफ कर्गल्लेपरीं पिगळोन वेताना? तिच्या ताळ्यांत चडल्लें कोडू पींत तिका पुगासीत करिलागलें. तिका खोंकली आयली.

रांदपाच्या कुडांत कसलिगी हिमटी घाण आसल्ली अनी कसलोगी मंद पुस्पुसीत आवाज.

"हांगासर हऱ्येका वसतूक तातांचो जागो आसा!" तिच्या सुनेन तिका कळयिल्लें. "आनी हर्केक वसत त्या जाग्यार आसाजे!" तर काडियां-पेट खंय आसा, ती विचारिगाली, नंज्यांनी दाटलेलो हासो पाचार्न.

हां! व्हय, कोलेजीक वेची तिची नात... अन्येचे ताबेंत आसचें तें हुळवुळ्ळें, बुल्भुळे नांत. तें सिग्रेट वोडतालें. चिमणेच्या वातीन धुंवर्चेपरीं धुंवोर सोडतालें.

कश्टांनी मेटां चडोन ती नातिच्या बेडरुमाक पावली. थोडी मटवीं सोदनां. तिका काडियां पेटच न्हय, सिग्रेटिच्या मुळकटांनी भरलेली पीर सयत मेळ्ळी.

माल्दिसांव पडों.

तिका जाय आसल्ली फकत ती कोप होनुनी काफी.

संदगांटिंच्या किर्किरिसांवां संगीं चडल्ल्याच कश्टांनी मेटां देंवोन ती रांदपा कुडाक पावली.

कसली ती हिमटाळी घाण? आनी तो पुस्पुसो आवाज?

नवीं घरांयी घाणतात?

आतां हांवेंयी वोंट वोळायजे?

हऱ्येकाक तातांचो जागो आसा सुनेचीं उत्रां तिच्या कानांनी घाजोंक लागलीं.

तर म्हजो जागो खंयसर?

हें सर्व हांवें मागल्लें? आशेल्लें?

लांकडांची रांदणी.

तीन मर्णां. आनी तिच्या मातियेच्या बिडाराचें द्वंस.

तीन दृश्यां, एका पाटल्यान एक तीनच हंतांनी तिका तिच्या पाटोसाथावन, तिच्या आल्तारीरथावन, तिच्या थोरायेथावन सकला देंवयिल्लीं तीं तीन दृश्यां.

आनी आतांचो तिचो "जागो." मांदून घेवंक असाध्य जाल्लो "जागो."

माल्दिसांव पडों, ती खिळंचली.


माल्दिसांव पडों.

..... .....

उपरांत,

तिणे काडी पेटयली.

*** ooo ***


ASHAWADI PRAKASHAN
Ashawadi Prakashan, St.Xaviers College, Dhempe College,
in collaboration with Goa Konkani Akademi, Karnataka Konkani Sahitya Akademi, Dalgado Konkani Akademi, In association with St.Aloysius University (Deemed), Fr.Agnel College Pilar, Carmel College Nuvem, Rosary College Navelim, Govt College Pernem, College of Arts Delem, Govt College Quepem organise
KATHAPATT - Series VII
Webinar Series for the Study of Konkani Short Stories
Supported by Michael Dsouza, Dubai
WEBINAR 2
Introduction of Edwin JF Dsouza's short stories
Paper on Edwin JF Dsouza's best short stories
by. Dharma Chodankar (HOD - Konkani, St.Xaviers College, Goa)
11 July 2026 Saturday 4:00pm to 6:00pm
https://meet.google.com/sot-kvfx-xmp
Edwin JF Dsouza
A study of Edwin JF Dsouza's short stories

# एडवीन जे. एफ. डिसौजा हांच्या वेंचीक कथांचें आकलन



- **धर्मा चोडणकार**

मंगळुरी कथाकार एडवीन जे. एफ. डिसौजा एक श्रेश्ठ कथाकार आनी कादंबरीकार जावन आसा. कन्नड, इंग्लीश आनी कोंकणी साहित्याच्या मळार आपलें म्हत्वाचें योगदान तांणी दिलां. ताच्या कांय वेंचीक कथांचें आकलन केल्या उपरांत कांय विशेश गजाली जाणवल्यो. ताचेंच मुल्यमापन हांगा करपाचो यत्न आसा. ताच्या चार कथांचें आकलन केले उपरांत एक आस्वादक ह्या नात्यान अशें स्पश्ट जाता की ताच्या कथांनी परिपक्वता दिसता. राष्ट्रीय आनी अंतरराष्ट्रीय कथां कडेन ताच्या कथांची सर करूं येता. भारतीय कथा साहित्याचें प्रतिनिधित्व करपी अश्यो ताच्यो ह्यो कथा जावन आसात. ताची नदर मुळावी आनी सर्वसामान्य मनशाचो थाव घेवपी. हाकाच लागून वाचप्याच्या काळजा-मनांत त्यो सहजपणान रिगतात. प्रतिभावंत साहित्यिकाची ही एक विशेशताय जावन आसा.

कथांची शैली आनी लेखन तंत्राक तांणी जितलें म्हत्व दिलां तितलेंच आशयाकूय दिल्लें आसा. कथेचें वातावरण तयार करपाची ताची तांक जबरदस्त आसा. कथेचें वातावरण कथेच्या आशयांत इतलें भरसून गेल्लें आसा की तें आमी वेगळें करूंक शकनात. देखीक, मातयेचें पोन्रें बिराड मोडून काँक्रिटाचें बिराड बांदप ही आयच्या काळांतली सगळ्यांच जाणांची इत्सा 'एक कॉप हुनोनी कॉफी' कथेंत सहजपणान आयल्या. हे कथेंत पोरण्या मातयेच्या घरांतल्या आनी नव्या काँक्रिटच्या घरांतल्या घडामोडींचें जबरदस्त वातावरण निर्माण केल्लें आसा. 'बण्णकड्डी' कथेंत सुरवातेक जॉनाच्या गरीब घराचें, गांवचे शाळेचें आनी मैदानाचेर पायपां मांडून दवरिल्ल्यान जाल्ले घटनेचें बारीकसणेन चित्रण करपी वातावरण, तशेंच 'कागदाची स्त्री' कथेंत सिग्नलाचेर पेपर विकपी भुरग्याचें चित्रण आनी गाडयेंत बशिल्ले बायलेचें जाल्यार 'मोतीक एक पाटो' हे कथेंत घरांतलें आनी घरा भायलें वातावरण लेखकान बरे तरेन चित्रायल्लें आसा.

चारूय कथांचो आशय बरे तरेन मांडिल्लो आसा. खंयच्याय कथाकाराचें मोल आंखतात तें तांच्या कथांच्या आशया वेल्यान. संवसाराचो अणभव आनी साहित्याचो

सखोल अभ्यास आशिल्लो लेखकूच असले आशय हाताळपाक शकता. ताच्या आशयाक प्रतिभेची नदर आसा. भोंवतणच्या समाजांतल्यान आपणाक जाय तो विशय, पात्रां सोदून काडून तांचीं सुखां-दुखां समजून घेवन, तांचे कडेन एकरूप जावपाची तांक ताच्यांत आसा. समाजांतलीं धोगां-पेंगां पळोवन तो दुखावता, सूख पळोवन सुखी जाता, भौसाच्यो व्यथा, तांचे हावेस, इत्सा मांडपी तांच्या वास्तवीक कथांचे आशय अशे तरेन मुखार आयल्यात. 'बण्णकड्डी' हे कथेचो आशय सांकेतीक रुपान मांडिल्लो आसा. क्रेयॉन्सांचो वापर करून एका कुलकार गरीब मनशाचो आपल्या भुरग्याक बरो फुडार दिवपाचो हावेस हांगा दिश्टी पडटा. आपल्या पुताक इंग्लीश मिडयामांत शिकोवन घराब्याचो फुडार पर्जळीत करपाची आवय-बापायची इत्सा आनी तेच इत्से आड वचपी आयचो वयलो समाज आनी तांची मानसीकता हें कथेंत दाखयल्या. 'मोतीक एक पाटो' हे कथेचो आशय गांवठी कुत्र्या भोंवतणी गुंथिल्लो आसा. जरीय हो कुत्रो विस्वासू आसलो तरीय local आशिल्ल्यान, ब्रिडीच्या कुत्र्यां मुखार ताचो value शुन्य आसा. पितृसत्ताक समाजाचो दरारो हे कथेंत दिश्टी पडटा. 'कागदाची स्त्री' कथेंत एक अनाथ भुरग्याचें चित्रण करताना, आपल्या जिवितांत पुराय समाधन मेळोवपाक आशेल्ल्या भुरग्याचो आशय कथेंत आयला. ताका दिसता काळे कारींत बशिल्ली स्त्री ताच्या जिवितांत बदल हाडपाक शकता. पूण ती स्त्री जणू काय कागदा वयली स्त्री आशिल्ल्याचो आभास लेखक आमकां वाचकांक करून दिता. तशेंच 'एक कॉप हुनोनी कॉफी' हे कथेंत मातयेचें बिराड सोडून काँक्रिटाच्या बिराडांत पावतकूच आधुनीक जिणेपद्दतीक लागून जाल्ल्या बदलांचें समाजीक कथानक कथेंत आयलां, जाका लागून पुता-सुनेच्या यांत्रीक धुनियेंत जाण्टे मांयक नात्यांतली हुनसाण, मोग आनी मायपास मेळना. नव्या बिराडांत सगळीं जाणां आसून लेगीत तिका नात्यांतल्या मायेचो धग फावो जायना. काँक्रिटाच्या बिराडांत दर एके वस्तूक आपली सुवात आसून लेगीत हे आवयक आपली सुवात नासता. अशे तरेन हुनोनी कॉफीच्या निमतान तिचें एकटेपण दर्शयलां. आयज आमकां व्हड-व्हड इमारती उबारिल्ल्यो दिश्टी पडटात पूण त्या इमारतींनी आपुलकी ना. त्यो मनशाक लागीं करच्या बदला तांकां त्यो पयस करतात. एकांताक बळी पडिल्ले आवयचो आशय हे कथेंत आयला. ह्या कथांचे आशय इतले समृध्द आसात की आस्वादक ते आडनदर करूंक शकनात.

सुचकताय, प्रतिकां आनी प्रतिमा ह्या कथांनी आयल्यात. 'बण्णकड्डी' कथेंत लेखक पायपाच्या माध्यमांतल्यान एक सुंदर रूपक घडयता. हीं पायपां म्हणल्यारूच मनशाच्या जिवितांतली प्रगतीची आनी उदरगतीची शिडी. जॉन हो कुलकाराचो भुरगो ही शिडी चडपाचो यत्न करता पूण संवसारांतले प्रस्थापीत लोकांचे मानसिकते आड हो

यत्न ताच्या आंगार येता. हे काणयेंत प्रतिकात्मक्ता दिसता. ह्यो रंगाळ काडयो म्हणल्यारूच त्या भुरग्याच्या जिवितांत आशेचीं रंगाळ चित्रां चित्रावपी माध्यम. पूण समाजीक मत्सराच्या काळखांत ह्यो काडयो पिंटोच्या घरांत रंगाळ चित्रां चित्रावपाक फाटीं पडटात. त्या पायपांक लागिल्लें तांबडे खत सकयल्या वर्गाच्या बलिदानाच्या करूण वास्तवाचें प्रतीक जावन आसा. हे काणयेच्या आदारान कथाकारान वास्तवाचेर बोट दवरून, गरिबांचीं रंगाळ सपनां घेवन मुखार चलतल्या भुरग्यांचेर हो समाज कशे तरेन आपली क्रूरता दाखयता तें स्पश्ट केलां.

तेच तरेन 'मोतीक एक पाटो' हे कथेंत पाटो हें मानाचें आनी प्रतिश्ठेचें प्रतीक. ताकाच लागून तो पाटो मेळोवपाचे आशेन मोती आपली जीण वगडायता. Local पेटे हे गरिबीचें प्रतीक जाल्यार भायल्या breed चे पेटे हे मोठेपणाचें प्रतीक जावन कथेंत आयलां. 'कागदाची स्त्री' कथेंत कारींतली स्त्री ही गिरेस्तकायेचें प्रतीक जाल्यार पेपर विकपी अनाथ भुरगो हें गरिबीचें प्रतीक जावन आयलां. ही स्त्री उच्च वर्गाच्या पोकळ, कोरड्या आनी जीव नाशिल्ल्या प्रतिश्ठेचें प्रतीक आसा, जिका गरीबांच्या भावनांची कसलीच कदर ना. 'एक कॉप हुनोनी कॉफी' हे कथेंत तें कॉप उदारतायेचें आनी आत्मियतायेचें प्रतीक जावन आसा.

ह्यो सगळ्यो कथा गांव आनी शारी जीण चित्रावपी. 'बण्णकड्डी' पुरायपणेन ग्रामीण जिणेचें चित्रण करपी तर 'कागदाची स्त्री' आनी 'मोतीक' एक पाटो' ह्यो पुराय शारी जिणेचेर आदारीत कथा आसात. 'एक कॉप हुनोनी कॉफी' ही गांव आनी गांवांत जावपी आधुनिकीकरण दाखोवपी कथा. एक बरो कथा लेखक म्हणून ताची जाणीव आधुनीक आसा. तेच तरेन गांवच्या देशी संस्कारांतल्यान ताची जाणीव घडत गेल्ली आशिल्ल्यान, शारी जिणेचें दर्शन घडयताना, गांवगिऱ्या वातावरणांत घडपी ग्रामीण संस्कृतायेचें चित्रण ताच्या कथांनी दिसता. लेखकाची दृश्टी फक्त व्यक्ती- केंद्रीत ना तर व्यक्तीच्या जिणेंतल्यो घडणुको समाजीक पर्यावरणांतूच घडत आसतात, हें भान लेखकाक आसा. ताका लागून ताच्यो कथा व्यक्तीचे भावनात्मक प्रस्न मांडटा आसताना त्या प्रस्ना फाटल्यान प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्षपणान समाजीक कारणांच आशिल्लीं दिसतात. तातूंत समाजाच्यो रुढी, निती, कल्पना, श्रध्दा, समज, परंपरा ह्यो व्यक्ती जिणेंतल्या भावनांच्या संघर्शांतल्यानूच निर्माण जातात हें ह्या कथांनी दिश्टी पडटा. ताची कथा समाजीक पर्यावरणांतूय घडत गेल्ली आसा. देखीक, तो प्रस्न मागीर जॉनाच्या स्वाभिमानाचो आसूं, अनाथ भुरग्याचे भावनेचो आसूं वा ते जाण्टे मायचो आसूं वा पेट्याचो आसूं.

ताच्यो कथा वास्तवीक आसात. सर्जनशील साहित्यकार हेर बरोवप्यां परस वेगळो आसता. दुसऱ्यांचें दूख पळोवन तो कळवळटा, जें वायट आसा तें पळोवन ताका तिडक येता, जें श्रेश्ठ आसा, पुज्य आसा ताच्या मुखार तो बागवता. हें सगळें आपल्या लेखनांतल्यान तो अशे तरेन मांडटा की वाचपी अंतर्मूख जावन वाचतात, ताका त्यो आपल्यो कश्यो दिसतात. आशया कडेन, पात्रां कडेन तो एकरूप जाता आनी हाचें मुखेल कारण म्हणल्यार कथांनी आयिल्लीं वास्तवीकता. बाब एडवीन डिसौजाच्यो सगळ्यो कथा वास्तवीक जिणेचेर आदारिल्ल्यो आसात. मनशाची शोकांतिका, मनोवृत्ती, वागणूक आपल्या कथांनी चित्रावपपाचो यत्न तांणी केला.

ह्या कथांनी भूंय आनी भाशेक कथाकारान म्हत्व दिल्लें आसा. 'बण्णकड्डी' कथेंत आपली भूंय आनी भाशे विशीं आशिल्लें मोठेपण लेखकान दाखयलां. आपूण व्हड जावच्या हावेसान आपली मांयभास सोडून परकी इंग्लीश भास आपणायल्ल्यान लेखकाक वायट दिसता. इतलेंच न्हय तर आपलो गांव, गांवचें सैम, न्हंय, तळी आनी बांयो उदकाची पायपलायण आयिल्ल्यान कशे तरेन नश्ट जावंक पावल्यात हाचेंय दूख लेखकाक जाता. आपली मूळ संस्कृताय आनी घर-दार मोडून उथळ पुरोगामी विचारांचो राक्षस आमच्या घरांनी पाविल्ल्याचें दूख तो मांडटा.

ह्या कथांनी बायलांच्यो समस्या मांडपाचो यत्न लेगीत जाल्लो आसा. पुरुशात्मक समाजवेवस्थे मुखार हतबल जाल्ल्या बायलांचें प्रतिनिधित्व करपी स्त्री आमकां 'मोतीक एक पाटो' कथेंत दिश्टी पडटा, जाल्यार आपल्याच घरांत एकलेपणान जगपी एके आवयचें वास्तव 'एक कॉप हुनोनी कॉफी' कथेंत प्रभावीपणान मांडलां. आयच्या समाजाच्यो समस्या, बायलांचेर जावपी अन्याय, अत्याचार ह्या कथांनी दिसून येता.

आत्मनिवेदी, तृतीय पुरुशी निवेदन आनी संवाद वापरून आपली कथा शैली प्रभावी करपाचो यत्न कथाकारान केल्लो आसा.

सगळ्या कथांचो अंत दुखान जालो तरीय तांचो शेवट लेखक वाचकांचेर सोडटा. 'बण्णकड्डी' कथेंत पायपांक लागिल्लें खत वा 'एक कॉप हुनोनी कॉफी' कथेंत पेटयल्ली काडी वा मोतीच्या गळ्यांत घातिल्लो पाटो वा कारींत बशिल्ले बायलेच्या मनांतले भाव हे वाचकांक कथेचो शेवट थारावपाक मेकळीक दितात. बरी कथा ही सगळेंच सांगचे परस सुचकतायेन वाचकांक निर्णय घेवपाक प्रवृत्त करता आनी अप्रत्यक्षांत तांकांय कथे भितर आसपावन घेता. 'कागदाची स्त्री' ही कथा abstract कथेचो प्रकार आशिल्ल्या कारणान वाचकाक केंद्र स्थानार दवरून ती बरयल्ली आसा.

सगळ्या कथांनी जबरदस्त संघर्श पळोवपाक मेळटा. हो संघर्श गरीब-गिरिस्तां मदलो जावं, सकयलो वर्ग आनी वयल्या वर्गां मदलो जावं, आपले प्रतिश्ठेचो वा स्वाभिमानाचो जावं, जनावरांचो जावं, मनशाच्या भावनां मदलो जावं, नात्यांतलो जावं, खोटे प्रतिश्ठेचो जावं, पिळग्यां मदलो जावं, विचारसरणे मदलो जावं, संस्कारां मदलो जावं वा सैमाचो जावं, अशे तरेचो प्रबळ संघर्श सगळ्या कथांनी आयिल्लो दिश्टी पडटा.

शेवटाक एक गजाल वायट दिसता, आदल्या काळा वयल्या अन्याय सहन करपी बायलांचें चित्रण कथांनी आयलां पूण आयची आधुनीक बायल मनीस हें मुकाट्यांनी सहन करपी आसा काय ना?, हातूंत दुबाव दिसता. तेच तरेन 'कागदाची स्त्री' ही कथा तशेंच कथेंतल्यो भावना समजुपाक कळाव लागता. ह्यो सगळ्यो कथा वाचकांचेर निश्चितूच परिणाम करतात. तेच तरेन वाचकां मदीं तिव्र संवेदना जागृत करतात. जिणेच्या ज्या घटितां विशीं लेखकाक सांगपाचें आसा तें त्या घटितां कडेन प्रामिणीक रावन, कल्पना आनी अतिशयोक्तीचो वापर न करता, तांणी सांगलां, जाका लागून वाचकांची जाणीव अदीक समृद्ध जाल्या. ह्या कथांतल्यान लेखकाक जें सांगूंक जाय ताचो जिवंत प्रत्यय वाचकांक येता.

## संदर्भः


1.डिसौजा, एडवीन जे. एफ. *बण्णकड्डी, मोतीक एक पाटो, कागदाची स्त्री, एक कॉप हुनोनी कॉफी.*


2.सरदेसाय, प्रा. लक्ष्मणराव. *कथाशिल्प.* जाग प्रकाशन, 1977.

3.क्राद्रूश, वल्ली. *चल दोन चंद्रांक*

4.बुडकुले, किरण. *अक्षर सरिता.* बिंब प्रकाशन, 2009.

5.नागवेंकार, हरिशचंद्र. *आस्वादन.* कालिका प्रिंटर्स, 1987.

6.संपादन- गोवा कोंकणी अकादमी, *साहित्यशिल्प.* 1959.


ASHAWADI PRAKASHAN
Ashawadi Prakashan, St.Xaviers College, Dhempe College,
in collaboration with Goa Konkani Akademi, Karnataka Konkani Sahitya Akademi, Dalgado Konkani Akademi, In association with St.Aloysius University (Deemed), Fr.Agnel College Pilar, Carmel College Nuvem, Rosary College Navelim, Govt College Pernem, College of Arts Delem, Govt College Quepem organise
KATHAPATT - Series VII
Webinar Series for the Study of Konkani Short Stories
Supported by Michael Dsouza, Dubai
WEBINAR 3
Edwin JF Dsouza
Review on 'Chol Don Chondrank' (The only book consisting of study articles on Edwin JF Dsouza's stories while he was with us)
by Dr.Chandralekha Dsouza (Retired HOD - Konkani, Goa University)
Paper on Edwin JF Dsouza's best short stories
by Dr. Reshma A Kholkar (Asst Professor-Konkani, Govt College, Khandola)
18 July 2026 Saturday 4:00pm to 6:00pm
https://meet.google.com/fpq-majp-oiv
A study of Edwin JF Dsouza's short stories

# 'चल दोन चंद्रांक' पुस्तकाचेर समीक्षा

**- डो. चंद्रलॅख डिसोज, गोंय**



'**चल दोन चंद्रांक**' पुस्तकांत ले. वल्ली क्वाड्रस, एडवीन जे. एफ. डिसोजा आनी वल्ली वग्ग हांच्यो मोटोयो कशेंचेर तुलनात्मक अध्ययन करपाचो यत्न करताना दोन्हूय लेखकांच्यो चार-चार काण्यो घेतल्यात. तातूंत:

मांडावळ: [काणी मांडून हाडयल्ली रीत]
निरूपण/गुणलक्षण: [काणीचें गुणलक्षण आनी उतरावळ]
कथावस्तु आनी बांदावळ [काणीचेक घेतलेली कथावस्तु आनी ती प्रस्तुत केल्ली रीत]
कथानक आनी दृष्टिकोण : [काणीचो ताळ [गाभो] आनी काणीगाराचो दृष्टिकोण]
संघर्ष/विवाद : [काणींत पितरायल्ली भाव संकीर्ण घडी वा हंतो] {अवस्थो}
संपणी : [अखेर केल्ली रीत]
मूळवो विषय : [काणीचो प्रमुख विषय, लिसांव वा संदेश]
शैली : [वरणात्मक, भास, अलंकार, उपमा, रूपकां] [पान ६ चेरेर आसा तशेंच बरयलां]

**समानताय:**

- दोन्हूय लेखक सामाजिक जीवन चितारतात.
- विभिन्नताय आनी वैविध्य.
- आशय अनुरूप विविधताय.
- संघर्ष आनी जीवन दोन्हूय लेखकां कडेन आसात. एडवीन डिसोजा वल्ली वग्ग

**फरक:**

- शारीकरण आनी आधुनिक जीण अनुभव - ग्रामीण शोषीत गुरयाव नासताना ख्यास्त
- Class क्लास अभिजात वर्ग - Mass मास सामान्य लोक
- अभिजात्य शैली उतरावळ पूण अभिजात्य - सामान्य शैली लोकाक संर्पकीत
- पात्र आनी सन्निवेश साहित्यीक अभिरुची - पात्र आनी सन्निवेश सामान्य खवता भोगिल्लो यथार्थ

- साहित्यीक अभिरुची सामान्य स्वता भोगिल्लो यथार्थ साहित्यीक थरार सामान्य थरार
- साहित्यीक थरार चड प्रस्तुत - सामान्य थरार प्रस्तुत
- परिसर आधुनिक - गांवगिरो वाठार
- आधुनिकतायेचे मानसीक ताण तणाव - भावार्थी आपलो खुरीस उबारपी धार्मिक चितव
- सांकेतीक रूपकांचो वापर करतात.

मोठ्या कणियांचेर दोन्हूय कणीयेगार आप आपल्या चिंतन अनुरूप आपलो आशय व्यक्त करतात. तुलनात्मकाचेची परिभाषा अंतर्गत विचार केल्यार;

*Comparative literature examines literary works across cultures, languages and time periods. It analyses connections between different traditions, exploring themes, genres and influences to gain a broader understanding of global literature [Fiveable2024].*

*The term 'Comparative Literature' is a troublesome term to be defined.*

*This term has been broadly defined as a study of 'literature without borders'. It's a unique discipline implies transcending frontiers of single languages and national literature.* [KNSAC]

दोन्हूय परिभाषेच्या विचारायप्रमाण तुलना संस्कृती, भाषा आनी समय हांचे अध्ययन करता. हातूंत परंपरा, थीम्स, साहित्यीक विधा, प्रभाव हांचे विश्लेषण विस्तृत संदर्भांत करपाचो यत्न आसता.

भार, देश, राष्ट्र हांच्या पलीकडेन वचून आंतरराष्ट्रीय रूपांत तशेंच एक साहित्यांतले परस्पर संबंध आनी कला म्हटल्यार चित्र, शिला, वास्तुरचना, संगीत वांगडा तुलना आसतात. इतलेंच न्हय तत्त्वज्ञान इतिहास, विज्ञान, धर्म हांचे विषयांचें अध्ययन पूण आसतात.

तशेंच राष्ट्र आनी विश्व पूण तांतूंत आसपावतात. इतलेंच न्हय तुलनात्मक अध्ययन म्हण्यार भार, देश, आनी संस्कृतीचें पूण अतिक्रमण करून एक विस्तृत दृष्टिकोण दिता. चिंतनाचें क्षितीज विश्लेषीत करपाक आधार दिता.

तुलना तिरस्कारणीय हे विचार सत्य आसा काय कितें ?

हो प्रश्न जेन्ना उपरासता तेन्ना लक्षांत येता की सर्व तुलना निरस्करणीय नारसता.

उपमा कालिदासस्य भारवेरर्थगौरवम ।<br>
दण्डीण पदलालित्य माघे सन्ति त्रयोगुणाः ।

**अर्थ**: महाकवि कालिदास हांची उपमा अद्वितीय आसता. उपमा भितर समानता/तुलना खातीर तें प्रसिद्ध जातां तर कवी भारवी अर्थ गौरव खातीर, दण्डीण, पदलालित्य खातीर तथा कवी माघ "शिशुपालवध" रचना अंतर्गत उपमा, अर्थगौरव आनी पदलालित्य तिन्यू गुणांनी संपन्न आसतात.

श्रेष्ठ आनी कनिष्ठांच्यो उतरंड खंयच्याय समाजात आसतात. स्मृती, वेद पुराणां भितर ताचें चिंतन अस्तुकेक दृष्टांती दृष्ट मानल्यां. जाती-वर्ण व्यवस्थां चिंतनाक लागून तुलनाचो तिरस्कार जावप स्वाभावीक आसा, पूण एक गजाल लक्षांत धरूक जाय ती म्हळ्यार तुलना अध्ययन श्रेष्ठांच्या वा कनिष्ठांच्या खातीर जायना पूण ह्या अध्ययनांत तर समानताय आनी फरक हांचे अध्ययन आसपावतात. कंय बाबींत साम्य आनी फरक दोन्हूय एक वेदेन तांका समान/सारकें समजप आनी दुसरी कडेन व्यवस्थेक वा वांगडे पळोवप अशी ही दोन्ही प्रक्रिया आसतात तावेंच तुलना म्हणतात. गणिती भाषेंत "त्रिभाजन नियम" नांवांन वळखतात. साम्य आनी भेद हांचें पूण एक द्वंद्वंद आसतात, तांतूंत पूण समान दिसून पूण ते समान आसना तशेंच जें भेद दिसतात तांतूंत पूण साम्य शोधप अशी ही प्रक्रिया आसतात. [मित्शेल, ३२१]

तुलनाकार वल्ली कवळ्ईस जरीय एक लिपीचे [कन्नड लिपी कोंकणी] उदाहरण घेता तरीय तें दोन लेखकां भितर साम्य आनी भेद हांचें विचार करताना साम्यांत भेद आनी भेदांत, साम्य आनी फरक शोधताना आपलें विचार मांडतात. हांगा एकूच [कोंकणी] आसा पूण लिपी भिन्न आशिल्ल्या कारणान तुलनाचे अध्ययन शिम, मेर, समाज, संस्कृती, देश, भारो ह्या संदर्भांत मर्यादीत जाताच. पूण कोंकणी भाषेच्यो लिप्यो नागरी, कन्नड, रोमी, मल्याळम, पर्शियो अरेबिक ह्या संदर्भांत हे अध्ययन लिपीचें जें भेद आसा ताचें अतिक्रमण करपाक सक्षम जाता हे नाकारूक जावचें ना. आमच्या देशांत बहुभाषिकताय आसा म्हूण आमका जयो भाषो येतात तांचें विशींय आमी अध्ययन करूंक पावतात पूण कोंकणी भाषे खातीर लिपी मर्यादीत हो एक आगळो-वेगळो भेद तयार जाता म्हूण आमचें खातीर हे तुलनात्मकाचे मर्यादीत अध्ययन महत्वपूण धरता. एडवीन डिसोजा हांच्यो ह्या चार्यो मोटोयो काण्यो;

१. बणपकड्डी - Crayons - रंगीत खडू वा लाप्स.
२. मेतीक एक पाटो/मूळ इंग्लिश A Collar for Moti.
३. कागदाची स्त्री
४. एक कप हुनोनी कोपी

वल्ली वाग हांच्यों

१. रानवटी
२. खांदी खरीस
३. तांबडें तळें
४. हांव भेरा आनी पमेला

नागरी लिपी जाणकारांनी ह्यो काण्यो वांचूकच ना [हादूच तांतूंतच आसपावतात.] कारण आमका कन्नड लिपी येना. ही आयची खर वास्तविकताय! आमचें प्रादेशीक सांकवच आमी जाळून उडयलात म्हूण आमकां ड्रोन अध्ययन हवाई हवाई सर्वेक्षण विहंगावलोकल कशी मेळटलें?

आमचें कोंकणी साहित्यीक अध्ययनूच मर्यादीत मागीर तुलनाचो प्रश्नूच खंय येता? हांकाव लागून हें पुस्तक जें फक्त ५२ पानांचेंच आसा एक मुळावी सुरवात पूण ह्या संदर्भानं खूब महत्वपूण धरता. जर गोंय कोंकणी भाषे खातीर “कुळागर” तर ह्या कुळागरांत आमी आमच्या कोंकणी मायेंच्या ह्या साहित्यीक वटवृक्षाक, तांच्यो खांद्यो, पाना, मुळां हांको कुळागरची मायेंची शिंपणावळ कित्याक करिनात? आमचें सांकवांक मायेंचें, समजिकीचें, एक्काराचें संजीवन कित्याक दिता? कुळागर सगळ्या सस्यांचो आसपाव करपाक सक्षम ना?

‘चल दोन चंद्रांक’ पुस्तकांत वल्ली कवळ्ईस आपलें विश्लेषण दिताना आपलें निरीक्षण तुलनेच्या स्वरूपांत आमच्या मुखार मांडटा आनी दोन्हूय काणीयेगार आप-आपल्या क्षेत्रांत कशें वेगळें आसात, तांच्या विचारांची तांक, तांच्या क्षेत्रांतले समाज, संस्कृती, पात्र, काणीचें विश्व अंतर्गत “दोगयी कोंकणचें दिग्गज/मान्य काणीयेगार. एकलो पडला दिशेचें चिंतव हाडलो तर दुसरो मुदलो दिशेचें चिंतव”. [पान ४०] तांच्या भितरले समान आनी फरक तशेंच त्या फरकांक लागून दोन्हूय आप-आपल्या सामाजिक संदर्भांत एक काणीयेगार अभिजात्य समाजांत आधुनिक शारांचें चिंतन दिता, तर दुसरो सामान्य वर्ग, सामान्य जन तांची विटंबणाय चितारयता. समाज आसा पूण सामाजिक चिंतन वेगळ्या स्तराचें आसा. सांकेतीक चिंतन आशय गाभ्या अनुरूप दोन्हूय चंद्रींभच आसा पूण तांची “साहित्यीक कळा” तांको वेगळोयतात. साम्य भितरां भेद, भेदां भितर साम्य तांतूंतले फरक आनी त्या फरकांक लागून एक द्वंद्वंद तयार जाता तांतूंतल्यान परत साम्य शोधप अशी ही दुहेरी प्रक्रिया आसा.

निर्माणें वल्ली क्राड्स हांच्या चिंतनातल्यानच फुडली वाट निर्माण जावपा खातीर तांचीच उतरां वापरता;

"कोंकणी भाषीक लोक आसा, तो साहित्य बरयता, वाचता पूण एक ऊण अजून आसचो म्हव्यार आमी वेगवेगळे द्वीप/कुद्रो [Island] जाल आसावं. आमचें मधे लिपी

बोलींचे पाणगेर आसा तो आमकां तितलेंच सलीसायेन् एकामेकां घडसूंक मदत करिना, पूण आता तांत्रीक सवतेक व्हापर्न जशें बुलडोजर गुंड्यांकमार्न रस्तो..."

करता तशें आमी सांकव बांदची गरज आसा. भाषांतरापरिच, लिप्यंतराचो सांकव, बोलींतराचो सांकव." [प्रस्तावन : पान ५]

चंद्रलेखा - ९८२३२६८५५०
chanda.dsouza@gmail.com
Fiveable: https://fiveable me
संकॅतथळ: २०२४
KNSAC: https://kngac.ac.in

**संधर्भवळ:**

Mitchell W.J.T. World Literature Today. Vol 70
No.2 [Spring, 1996] pp.321 -324 - 4 pages
Published by: Board of the Regents of the University of Okhlahoma - American Indian Law - Review

# एडवीन डिसौजा हांच्यो वेंचीक कथाः एक नियाळ

- डॉ. रेश्मा अमीत खोलकार



**सारांश**:
एडवीन डिसौजा हांचो जल्म 14-6-1948 वर्सा जालो. तांचे पयण, तरणी किरणां सारकीले कथाझेले उजवाडाक आयल्यात. तशेंच ताणी कांय कथांचो अणकारूय केला. अशा ह्या लिखीत तशेंच अणकारीत वेंचीक कथांचो आस्पाव हांवें म्हज्या प्रपत्रांत केला. एडवीन डिसौजा हांच्या कांय वेंचीक कथांनी चित्रीत जावपी सामाजीक यथार्थाचो नियाळ केला. नियाळ करतना हांवें व्यक्तींची वागणूक हिसबांत घेत तांकां फावो ती शब्दावली दिल्या.

**विशय केंद्रीत उतरां**:
संस्कार, विश्वास, विभक्त कुटूंब, वागणूक, व्यक्तीमत्व.

**प्रस्तावना**:

समाज हो फकत व्यक्तींचो संग्रह न्हय, तर संस्कृताय, परंपरा, मुल्यां आनी सामुहीक जाणविकाय हांचे जिवें मूर्त रूप. काळ बदलता, परिस्थिती बदलता; पूण समाजाक एकठांय बांदपी मनीसपण, परस्पर विस्वास आनी सहकार्याची भावना सासणाची उरता. समाजाच्या प्रगतीचो मार्ग फकत भौतिक उदरगतींतल्यान न्हय, तर समाजीक जागृताय, संस्कृतीक समृध्दी आनी सामुहीक सहभागांतल्यानूय जाता. मंगळुरी समाजाचो हो गिरेस्त प्रवास, परंपरा आनी शैली उक्तावपाचो यत्न ह्या कथांनी जाला. एडवीन डिसौजा हांचे विशय सादे सरळ दिसपट्टे जीणेंत घडपी पूण तांचे विशय वाचप्यांक बोध दितात वा शिटकावपाचो यत्न करतात. तेच बरोबर ते कथेचो शेवटूय जुस्त करतना दिसतात. अशाच कांय कथांतल्या पात्रांचो आस्पाव हांवें म्हज्या प्रपत्रांत केला.

लेखक एडवीन जोसेफ फ्रान्सिस डिसौजा हांच्या कथा साहित्यांतल्या पात्रांच्या वागणुकेची विविधांगीं रुपां

**स्रेश्टतायेची ग्रंथी** (*Superiority Complex*)

"आल्फ्रेड एडलर हांच्या मता प्रमाण शारिरीक वा मानसीक फ्राकेजीक लागून व्यक्ती भितर जेन्ना न्युनगंड तयार जाता तेन्ना ती स्रेश्ट जावपाचो यत्न करता आनी हाका लागून व्यक्ती कुंप्लिकाद जावन पडटा. मनीस आक्रमक, अहंकारी, स्वताक श्रेश्ठ समजूंक लागप हीं ताचीं लक्षणां. "1

अशेच तरेचीं लक्षणां एडव्हीन डिसौजा हांच्या चिंपाझी कथेंतल्या मारिया ह्या पात्राभितर दिसता. मारियाचे धुवेक वनिशा ह्या पात्राक बावल्यांचो भोव सोस आसता तें

सदांच बावल्यांक घेवन न्हिदता. पूण तांगेर वावराक येवपी लक्ष्मीचो पूत तिप्पा ताचे बावले पळयता आनी ताकाय त्या बावल्यांप्रती ओढ निर्माण जाता. त्या बावल्या सांगातान तिप्पाक खेळन दिसता. वनिशा तिप्पाक बरें करता पूण मारिया मात लक्ष्मी आनी ताच्या पुतालागीं पायांची व्हाण पांयांकूच बरी अशें म्हणून हे म्हणी प्रमाण वागता. ही म्हण कथेंत संवादावरवीं आयिल्ली दिसता. पूण तिप्पाच्या दोळ्यांत सगळ्यांत चड भरता तो पङ्ग्याक लायिल्लो चिंपाझी. एक दीस तिप्पा दुयेंत आशिल्ल्यान इस्पितळांत आसता आनी तो इंजेसांवां कसोच घेवपाक सोदिना तेन्ना ताका आवय आपूण तुका चिंपांझी दितली तूं इंजेसांवां घे म्हणून सांगून ताच्या मनाची तयारी करता आनी तिप्पा इंजेसांवां घेवपाक तयार जाता. लक्ष्मी तिप्पाक लागून चिंपाझी फारायता पूण ताचो कांय एक उपेग जायना तिप्पाक मरण येता आनी ती चिंपाझीक आपणे फारायल्लो हें मान्य करून आशिल्ल्या त्या पङ्ग्याक चिंप्पाजीक हुमकळायता.

बण्ण कङ्डी ह्या कथेंत पन्ना नावाच्या भुरग्याक (superiority complex) श्रेश्ठतायेची ग्रंथी आशिल्ली दिसता. तो जोनाक चिमटे काडटा. ताका कुळकार म्हण्टा. पन्ना विद्यालयांत आनी भायर जोनाक आनी जोनाच्या बापायक हिणसायता. देखीक : " क्रेन म्हणच्या बदलाक किरायन म्हणता"2 पूण जोन शिकपा बरोवपाक बरो आशिल्ल्यान शिक्षक ताची तोखणाय करता आनी हीच तोखणाय पन्ना ह्या पात्राक त्रासदायक थारता.

## जुवानपण आनी आकर्शण

कागदाची स्त्री हे कथेंत 13 वर्साच्या दिसाळें विकपी भुरग्याक एके मध्यम पिरायेच्या बायलमनशेप्रती आकर्शण जाता म्हणुनूच तो चालकाकडेन दिवपी दिसाळें ते बायलेकडेन दिवपाक उतावीळ जाता. पूण ती फाटल्या सिटार बशिल्ली बायल कशेंच ताच्या हातांतल्यान दिसाळें घेवपाक तयार नासता. तो भुरगो जायते यत्न करता. अशा ह्या पिरायेक लागून शारिरीक गुप्त आंगान वाढ जावप सहाजीक आसता. अशा हे पायरेक प्युबीर्टी म्हणल्यार जुवानपण म्हणटात. हे पिरायेंत भावनीक चढ उतार जावपाची शक्यताय आसता मूड स्विंग जावप होर्मोन्साच्या बदलांक लागून एका खिणाभितर खूब आनंद आनी दुस-या खिणाक खूब उदासपण दिसपाक लागता. तशेंच अतीसंवेदनशिलताय निर्माण जाता.

आकर्शण हें मुखेलपणान दुसऱ्या मनशाचें रूप, आवाज वा शैलीचेर आदारून आसता. मुखेलपणान "तो/ती कितली बरी दिसता"हाचेरूच भर दिवप जाता. तांच्या दोशांचेर दुर्लक्ष करप वा ते मात्तूय दीस नासप. हे बदल ते भुरग्या भितर संवादांतल्यान जाणवतात. पूण तो भुरगो एक दीस मरता तेन्ना ते मध्यम पिरायेचे बायलेक कुवाडें पडटा. तो भुरगो आपले कडेन पेपर कित्याक दिवपाक सोदतालो काय?

पूण ते कुवाडें तिचे खातीर कुवाडेंच उरता.

## विभक्त कुटूंबशैली आनी परिणाम

खाट हे कथेंत आश्रमाचो उल्लेख येता. हांगां पूत आपले जल्मदाते आवयक आश्रमांत दवरपाची तजवीज करता. आवय जेन्ना पुताक म्हण्टा आपली पोरण्या घरांतली खाट आपल्याक नव्या घरांत जाय तेन्ना पूत तिका सरळ आश्रमाची वाट उक्ती करता. अशी ही मानसीकता घडपाफाटली कारणां सांगची जाल्यार बदलती कुटूंब पध्दती अशें म्हणू येता. विभक्त कुटूंब पध्दत हाका कारणीभूत थारता. आदले तेंपार संयुक्त कुटूंब पध्दत आशिल्ल्यान घरांत खूब लोक आसताले. पूण आयच्या आधुनीक काळांत घोव बायल आनी भुरगीं इतलेच मर्यादीत कुटूंब आसता. लग्ना उपरांत मनशाच्या जिवितांत नवी भुमिका, जापसालदारक्यो आनी संबंद उदेतात. ह्या बदलांक समायोजीत करतना कांय व्यक्तींक ताण, मानसीक दबाव आनी भुमिका संघर्श हांचे कडेन झुजचें पडटा. बायल, भुरगीं आनी जाण्टी आवय हांची अपेक्षा पुराय करपाचो यत्न केल्ल्यान निर्माण जावपी मानसीक ताण मनशाक सोपो मार्ग वेंचपाक लावंक शकता. कांय प्रकरणांनी आवय-पुता मदलें भावनीक नातें दुबळें आसता. भुरगेपणांतल्या अणभवांतल्यान, पुराय जावंक नाशिल्ल्या भावनीक गरजांक लागून वा फाटल्या कुटुंबीक संघर्शाक लागून निर्माण जाल्लें भावनीक अंतर जाण्टेपणांत लेगीत तिगून उरूंक शकता. ताका लागून पुताक आवय कडेन कर्तव्याची भावना आसली तरी चड करून भावनीक लागींचो उणाव आसता.

### म्हातारपण आनी जिणेशैली

एक कप हुनहुनीत कॉफी हे कथेंत तिचो पूत काजार जाल्या उपरांत मातयेचें घर मोडून सिमाटाचें घर बांदता. पूण तिका रान्नीर रांदपाची सवंय आसता. रान्नीवयल्या कॉफीच्या सुवादाक तिचे नदरेंतल्यान वेगळीच मजा आसता पूण जेन्ना तिची रानन वता तेन्ना तिका भोव दूख भोगता कारण तिच्या पुतान घर बांदपाचो निर्णय तिका विचारनासतना घेतिल्लो आसता. तातूंत भर म्हणून तिचो घरकारूय गेल्लो आसता. चुलीचेर सुगंधी कॉफी तयार करप हो तिचो जायतीं वर्सां दिसपट्टो विधी आसता. ती जगिल्लो काळखंड जंय लांकडाचो धुंवर, लांकडाचो जळपाचो आवाज आनी कॉफीचो सुगंध आसता तो तिच्या मनांत घर करून आसता. पूण आर्विल्ल्या गॅस वा चुलींतल्यान ती जिवी उशणताय मेळना. म्हणुनूच तिका आपली वळख गमावपाची भावना अस्वस्थ करता. एका काळार ती ते चुली भोंवतणीं आशिल्लें पुराय घराचें वेवस्थापन करताली आसता. आनी अकस्मात त्या नव्या घरान तिचें व्यवस्थापन काडून घेतिल्लें आसता. आनी म्हणुनूच नवी रांदचीकूड सोयीस्कर आसली तरी थंय तिची सुवात वा म्हत्व उणें जालां अशें तिका दिसपाक लागता.

### बालमन आनी दुयेंस

भावनीक सुरक्षीतताय, मोग आनी लागींचे संबंद तयार करपाक भुरगेंपण हो एक म्हत्वाचो काळ. गंभीर शारिरीक दुयेंसांक तोंड दिवपी भुरग्यांच्या मानसीक भलायके खातीर कुटुंबीक आदाराची भुमिका म्हत्वाची थारता. मेरी क्रिसमस डॅडी हे कथेंत

लेखकान ल्युकेमिया हें दुयेंस आशिल्ल्या आठ वर्सां पिरायेच्या चलयेची भावनीक स्थिती मुखेलपणान चित्रीत केल्या. ही चली आश्रमांत रावता. तिच्यो दिसपट्ट्यो गरजो आश्रमांत आशिल्ल्यो व्यक्ती भागयतात तरी तिका तिच्या बापायच्या मोगाची याद येता. बाल मानसशास्त्राच्या मता प्रमाण भुरग्यांचे भावनीक उदरगती खातीर आवय-बापायन भुरग्यांकडेन सुरक्षीत भावनीक संबंद दवरप गरजेचें आसता. दीर्घकाळ दुयेंस, आश्रमांत रावप, आवय-बापूय नाशिल्ल्यान भुरग्याक एकसुरेपण येवप, असुरक्षीतताय सारकिल्यो भावना निर्माण जावपाची शक्यताय आसता. पूण भुरग्यांच्या मानसीक लवचीकपणांत आशा हो एक म्हत्वाचो घटक आसता. दुयेंसाक लागून कूड दुबळी जाली तरी भावनीक संबंदांची गरज उणी जायना; उरफाटें अशा परिस्थितींत मोगाची आनी मान्यतायेची गरज वाडटा. नाताळाक मोगाचो, भेटीचो उत्सव मानतात. अशा वेळार वनेस्सा आपल्या जिणेचे निमणे खीण मेजतना दिसता. इतल्यान वनेसा हे चलयेचो डॅडी येता. देखीक “कोण आयला पळे खटल्या देगेर बसून तिणे वनेस्साचे दोळे उक्ते केले.” 3 त्या दिसा  वनेस्सा हे चलयेक तिचो बापूय तिका भेट दिवपाक येतलो अशी खर इत्सा आसता. तशेंच हांगां बापायचीय स्थिती बिकट आसता. देखीक “हांव म्हाकाच फटयतालों,पूण आयचे राती म्हाका एके धुवेची गरज पडली.”4 निमणेकडेन बापायच्याच बेगेंत तें जीव सोडट्टा.

**मनीसपण आनी प्रामाणिकपण**

चॉकलीटा हे कथेंत बाबूबाबा हे पात्राक गोडेमुताचें आसलें तरी तो चॉकलेटी खावपाचें सोडिना ताका चॉकलेटी खावपाचो भोव घोस्त आसता. तातले तातूंत विदेशी चॉकलेटी खावपाचो घोस्त आशिल्ल्यान  बाबूबाबा चॉकलेटी खावन तांची कागदां आपलेगेर वावर करुंक येवपेच्या पोत्यांत घालता. हींच बाबूबाबाचीं कागदां घरांत हाडिल्ल्या कोयरांतल्यान वेंचून तिचीं  भुरगीं हस्तकला स्पर्धेंत इनामां जोडट्टात. पूण एक दीस बाबूबाबा मुद्दाम तिच्या कोयराच्या पोत्यांत दोन विदेशी चॉकलेटी घालता. पूण दुस-याच दिसा ही भुरगीं येवन बाबूबाबाच्या हातांत त्यो चॉकलेटी परत करतात. देखीक: “ कालच्या कोयरांत हीं दोन चॉकलेटी आमकां मेळ्ळीं, तूं तीं खावंक विसरलो अशें दिसता .”5

हाचेवेल्यान तांचे भितर आशिल्लें मनिसपण आनी प्रामाणीकपण स्पश्ट जाताच आनी लेखक नकळत बालमनाक देख दितना दिसता. मनीसपण आनी प्रामाणिकपणा हे दोनूय गूण एकामेकांक जोडिल्ले आसतात. मनशाच्या ख-या चरित्राची आनी संस्काराची कसौटी लागता ती म्हणल्यार गरिबीन. गरिबी ही मनशाची परिस्थीती पूण प्रामाणिकपणा हो मनशाचो नैतीक गूण. जायते फावटीं गरीब परिस्थीतींत फावो तशे पयशे खर्च करपाक मेकळीक नासता. अशा वेळार चुकिच्या मार्गार वचपाचो मोह व्यक्तीक जावं येता. पूण त्या मोहाक बळी पडनासतना प्रामाणिकपणान जगप होच दर एका व्यक्तीचो खरो पायो थारता. ह्या कसोटीक हीं दोनूय भुरगीं पार करतना दिसतात.

**मद्यासक्ती (*Alcoholism*) आनी परिणाम**

मनीस वायट नासता पूण तो भोगतली परिस्थीती वायट आसता. जायते फावटीं मनीस हेरांक सांगात करपाक सोरो घेता आनी मागीर ती सो-याची लागण केन्ना आनी कशी लागता हाचो पत्तोच लागपाक पावना. हें निती थावन पळापळ हे कथेंतल्या पावल शेट ह्या पात्रा भितर दिसता. ब-या मनशाची वाट सो-याक लागुनूच लागता. भावना, उमेद, शारिरीक शक्त, मनशां सगलेंच ताचे पसून पयस वता. तशेंच हे कथेंत आनीक एक पात्र येता. तो हें पात्र पावल शेटीगेर बिराडाक रावता आनी ताची वागणूक तो ह्या पात्राक मात्तूय आवडना. तशेंच ह्या मध्यासक्तीक लागून पावल शेट हें पात्र आपले कडेन बिराडाक रावतले व्यक्तीचेर लेगीत सुरी घालपाचे विचारांत आसताच. इतल्यान कथानक नवें मोडण घेता. पावल शेट हे व्यक्तीगेर जी भाड्याक रावपी व्यक्ती आयिल्ली आसता तिका न्हिदान चलपाचें दुयेंस आसता. जाका(Somnambulism) म्हणल्यार न्हिदान चलपाचें दुयेंस अशें म्हण्टात. लेखकान कथेक योग्य असो माथाळो दिल्लो आसा. तो म्हणल्यार निती सावन पळापळ. प्रत्यक्षान जरी तो शेटीक मारपाक पावल उबारीनासलो तरी तो न्हिदान सुरी घेवन ताका मारपाक भायर सरता. हें दुयेंस ताका आशिल्ल्यान तो सुरी घेवन पावलाच्या हुंब-यार पावता पूण कोणे तरी खोंट मारिल्लेवरी दिशिल्ल्यान ताका जाग येता आनी तो हातांत सुरी पळोवन भियेता. पूण ताचे भितर दडिल्ले संस्कार ताका हें काम करपाक दिना आनी निमणे कडेन आपणे ताका मारूंक ना म्हणून तो समाधानी जाता.

**निश्कर्श:**

एडवीन जोसेफ फ्रान्सिस डिसौजा हांच्या लिखीत तशेंच अणकारीत कथांचो नियाळ करतना कांय गजाली म्हज्या नदरेक पडल्यो त्यो अशो, मनशाच्या जिविताचेर जायत्या समाजीक, मानसीक आनी वैयक्तीक घटकांचो प्रभाव पडटा. श्रेश्ठतायेची भावना मनशाक हेरां पासून पयस करपाक शकता, जाल्यार प्रामाणीकपण मनशाक स्वता कडेन आनी समाजा कडेन जोडटा. विभक्त कुटुंब वेवस्था स्वातंत्र्य आनी मेकळीक दिता, पूण त्याच वेळार भावनीक आदार, पिळगेचो अणभव आनी सामुहीकतायेचो उणाव निर्माण करूंक शकता. किशोरवयीन आकर्शण हें विकास प्रक्रियेंतलें एक सैमीक आनी म्हत्वाचें पावल; योग्य समजूत, संवाद आनी मार्गदर्शन मेळ्ळ्यार तरणाट्या मनांक योग्य दिका मेळूंक शकता. दुसरे वटेन सोऱ्याचें व्यसन फकत व्यक्तीचे भलायकेचेर न्हय तर कुटुंबांतल्या संबंदांचेर, अर्थीक स्थितीचेर आनी मानसीक शांतीचेरूय परिणाम करता. आश्रम सारकिले चालंत विशय सद्या मोठे प्रमाणांत वाडिल्ल्या आश्रमाच्या आंकड्यां वेल्यान दिसतात. ते लेखकाच्या कथेचे विशय थारतात. हाचे फाटलीं कारणां म्हणल्यार कुटुंबीक दुर्लक्ष न्हय तर भावनीक परकेपण, बदलपी कुटुंबीक मुल्यां, अर्थीक अडचणी, काळजी घेवप्यांचो ताण आनी समाजीक परिस्थिती अशे वेगवेगळे घटक दिसून येतात. अशे परिस्थितींत जाण्ट्यांक भावनीक आदार आनी समाजीक सुरक्षा मेळप खूब म्हत्वाचें आसता.

तशेंच लेखकान ल्युकेमिया सारकिल्या गंभीर दुयेंसाक लागून भुरग्याच्या शारिरीक भलायकेचेरच न्हय तर तिच्या भावनीक आनी समाजीक जिणेचेरूय परिणाम जाता हें दाखयलां. आश्रमांत रावतना, आपल्या मनशांचो सांगात जाय जायसो दिसलो तरी तो मेळप अशक्य आशिल्ल्यान जावपी वेदना लेखकान बेस बरे तरेन मांडल्या. आनी निमाणेकडेन आधुनिकता आनी परंपरा, स्वातंत्र्य आनी जापसालदारकी, भावना आनी विवेक हांचे मदीं समतोल दवरप गरजेचो आसता हें सांगपा खातीर ता एडवीन जोसेफ फ्रान्सिस डिसौजा हांणी केविविधांगी विशयावेले बरप केल्लें दिसता.

## संदर्भ वळेरी



1 https://en.wikipedia.org/wiki/Superiority_complex

2 क्वाद्रूश वल्ली: चल दोन चंद्राक :बण्णा कड्डी: पान क्र 8

3 डिसौजा एडवीन: पयण: प्रकाशक बिंब प्रकाशन आगशी गोंय: 2014: पान क्र. 96

4. डिसौजा एडवीन: पयण: प्रकाशक बिंब प्रकाशन आगशी गोंय 2014: पान क्र. 96

5. संपा. गांवकार भालचंद्र, साखरदांडे अंजू, नायक नित्यानंद: प्रातिनीधीक कथा झेलो: प्रकाशक – चेतन आचार्य कोंकणी भाशा मंडळ मडगांव गोंय. पान क्र. 97


ASHAWADI PRAKASHAN
Ashawadi Prakashan, St.Xaviers College, Dhempe College,
in collaboration with Goa Konkani Akademi, Karnataka Konkani Sahitya Akademi, Dalgado Konkani Akademi, In association with St.Aloysius University (Deemed), Fr.Agnel College Pilar, Carmel College Nuvem, Rosary College Navelim, Govt College Pernem, College of Arts Delem, Govt College Quepem organise
KATHAPATT - Series VII
Webinar Series for the Study of Konkani Short Stories
Supported by Michael Dsouza, Dubai
VALEDICTORY WEBINAR
Inauguration: Ms. Ursula Barreto (Principal, St.Xaviers College, Goa)
Chief guests: Dr.Ramu Murthy (Principal, Dhempe Collehe, Goa)
Dr.Austin Dsouza Prabhu, USA (Editor, Veez e-weekly)
Dharma Chodankar (HOD- Konkani, St.Xaviers College, Mapusa)
Fr.Luis Gomes, Fr.Chetan Lobo (Editor: Kuttmacho Sevak)
Dr.Chandralekha Dsouza (Retired HOD: Goa University)
Prakash D Naik, Mahesh R Nayak (Publisher: Kallachchu Prakashan)
Monica Dsa Mathias, Dublin (Award winning Author)
Anju Sakhardande (Dhempe College, Miramar)
Edwin JF Dsouza
A study of Edwin JF Dsouza's short stories
25 July 2026 Saturday 4:00pm to 6:00pm
https://meet.google.com/sot-kvfx-xmp

# आशावादी प्रकाशनाचीं पुस्तकां

2002

1. **आशावादी** (कथाजमो, वल्ली क्वाड्रस)

2003

1. **च्यार मुखां** (कविताजमो, वल्ली क्वाड्रस)
2. **जिविता सोभाण** (तर्जण कविता, जोर्जी पींत आय्कोळ)
3. **खिळो** (कथाजमो, वल्ली क्वाड्रस)

2004

1. **कट्पुत्ळी** (कविताजमो, वल्ली क्वाड्रस)
2. **कय्द्याच्यो कविता** (कविताजमो, एच्चेम पेर्नाल)
3. **व्हळू व्हळू व्हाळ व्हाव्ळ्या** (कविताजमो, आंड्र्यू एल. डि'कुन्हा)

2005

1. **विंच्णार चिंतप आनी भग्णां** (जेम्मा पडिल)
2. **सतां आनी खतां** (नय्तिक कथा, वल्ली क्वाड्रस)
3. **सर्गावय्ली मांय** (कथाजमो, रोनाल्ड ओलिवेरा)
4. **कंगाल आनी ताची कुक्केहळ्ळी** (कथाजमो, वल्ली क्वाड्रस)
5. **मोतियां आनी तारां** (कविता संकलन, वल्ली क्वाड्रस)
6. **कवितापाठ** (अध्ययन, वल्ली क्वाड्रस)

2006

1. **पाटिं गांवाक** (पय्ली इ-कादंबरी, वल्ली क्वाड्रस)
2. **बामुणांचें चेडुं** (कविताजमो, एच्चेम पेर्नाल)
3. **दर्भारांत्ली पिंर्गोण** (कविताजमो, वल्ली क्वाड्रस)
4. **दर्याक उदक** (अध्ययन, वल्ली क्वाड्रस)
5. **सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (पय्लें इ-पुस्तक, कवितासंकलन)

2007

1. **आडोसांतलीं फुलां** (कविताजमो, आस्टिन प्रभु, चिकागो)
2. **आटव्या रंगाचो धोणु** (कविताजमो, मेल्विन जे, वास)
3. **शिंपड्लेलिं मोतियां** (कविता संकलन, वल्ली क्वाड्रस)
4. **मुखां पाटलीं रुपां** (कविताजमो, अनिल पेर्नाल)
5. **मोळबावयलीं स्वपणां** (संपादकीयां, वल्ली क्वाड्रस)
6. **कुल्कुलो** (कविताजमो, सिज्येस ताकोडे)
7. **तिंतेरांत पिंतुरां** (कविता संकलन, वल्ली क्वाड्रस)
8. **काळोक नातल्लो गांव** (अध्ययन, वल्ली क्वाड्रस)

2008

1. **म्होंव आनी मूस** (कविताजमो, मेल्विन पिंटो नीरुडे)

2017

1. **बंध** (कथाजमो, वल्ली क्वाड्रस)
2. **अपवित्र संबंध** (कथाजमो, वाल्टर लस्रादो)
3. **सर्गावयली मांय** (कथाजमो, रोनाल्ड ओलिवेरा)
4. **बजार** (कविताजमो, कन्नड, वल्ली क्वाड्रस)
5. **मुगदनाल्लिं गितां** (कविता विष्लेषण, वल्ली क्वाड्रस)
6. **मोनी बॉब** (कविताजमो, जॉन सुंटिकोप्प)
7. **मुखामुखी** (संपादकीयां, वल्ली क्वाड्रस)

2018

1. **बजार** (कविताजमो, नागरी, वल्ली क्वाड्रस)
2. **पार्टिं पर्तल्लिं ल्हारां** (तर्जण कथा, वाल्टर लस्रादो)
3. **तान** (कविताजमो, प्रसन्न निड्डोडी)
4. **बायिल बम्मणु** (कविताजमो, वसुधा प्रभु)
5. **सुक्ती भर्ती** (कविता विश्लॆषण, वल्ली क्वाड्रस)
6. **पडबिंब** (कविताजमो, रीटा आल्बुकर्क)
7. **काळजा उडी** (कविताजमो, रोशुबाबा, बार्कूर)
8. **चाबूक आनी हेर कथा** (कथाजमो, रोनाल्ड मोंतॆरो)
9. **परनो रूक आनी तरनी वाल** (कथाजमो, एव्री पांग्ळा)
10. **शिम्टी आनी हेर कथा** (कथाजमो, स्टॅन्रो अजेकार)

2019

1. **कंगालन कुक्केहळ्ळिय कतेगळु** (कथाजमो, कन्नड, वल्ली क्वाड्रस)
2. **एक नवो संसार** (कथाजमो, मा।चेतन कापुजिन)

2020

1. **नवी दिशा** (कथाजमो, मोनिका डेसा मथायस)
2. **फांत्यापाराचें सपण** (कथाजमो, वाल्टर नंदळिके)
3. **कोंबो आनी झुज** (कथाजमो, स्टीफन पिंटो कार्कळ)

2021

1. **पड्साद** (संपादकीयां, कन्नड, वल्ली क्वाड्रस)

2022

1. **पड्साद** (संपादकीयां, नागरी, वल्ली क्वाड्रस)

2023

1. **आटवो सुर** (कविताजमो, सलॊमी, मियापदव)
2. **पानांच फुलां जाताना** (कविताजमो, मोनिका डेसा मथायस)
3. **दानियेल आनी एस्तेर राणी** (मा.रोनाल्ड सेरावो)

2024

1. **मृगजळ** (कथाजमो, डो.एड्वर्ड एल, नज्रेत)
2. **मायानगरी** (कथाजमो, वल्ली क्वाड्रस)
3. **निर्वासित यात्रिची भंवडी** (कविताजमो, शैलॆंद्र मेह्ता)
4. **इंद्रधोणु उदेंव** (कविताजमो, उदय एन. म्हांब्रो)

२०२५

1. **फुलां तुरो** (पय्लें आस्तुरी-कवितासंकलन, कन्नड + नागरी)
2. **मळ्सूद** (कविताजमो, ग्वादलूप डायस, कविता)
3. **सुर्यो उदेला** (राष्ट्रीय मट्टाचें कथासंकलन, कन्नड)
4. **सूर्या उदेला** (राष्ट्रीय मट्टाचें कथासंकलन, नागरी)
5. **सूर्या उदेला** (राष्ट्रीय मट्टाचें कथासंकलन, रोमी)
6. **कात्रिन** (कादंबरी, विल्ली गॊयेस)
7. **भितर्लो कवी** (कविताजमो, वल्ली क्वाड्रस)
8. **म्हजो गांव रड्ता** (कविताजमो, एड्विन पिंटो)
9. **Koकणी** (लिप्यंतर तांत्रिकता, वल्ली क्वाड्रस)
10. **मोड्कुळ** (कविताजमो, प्रकाश द. नाय्क)
11. **मायानगरी** (कथाजमो, रोमी, वल्ली क्वाड्रस)
12. **तिची काणी** (कथाजमो, डो.जयंती नाय्क)
13. **सपणांतल्या गांवची वाट** (कविताजमो, उदय म्हांब्रो)
14. **साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (अध्ययन, कन्नड)

15. **चल दोन चंद्रांक** (अध्ययन, कन्नड, वल्ली क्वाड्रस)
16. **कथाविहान** (अध्ययन, कन्नड)
17. **आम्गेल्यो कोंकणी काणियो** (कथाजमो, कन्नड, मा.जॅसन पिंटो)
18. **उज्वाडाच्ये वेंगेंत** (कविताजमो, कन्नड, आंड्रूयू एल. डिकुन्हा)
19. **नानुच्या साण्याथाव्न** (विमर्सो, नानु मरोल तोट्टाम)
20. **उदकाचो आरसो** (कथाजमो, मेल्विन जे. वास)
21. **जांब्ळाचो रूक आनी हेर कथा** (कथाजमो, क्याथरिन रोड्रिगस)
22. **WFH अनी हेर कथा** (कथाजमो, कन्नड, वल्ली क्वाड्रस)

23. **मुदल** (लॅखनां, स्टीवन क्वाड्रस)
24. **कथापाठ** (अध्ययन, कन्नड)
25. **अंतर मन** (कविताजमो, कन्नड, उर्जिता भोबे)
26. **भृमिदेंल्ल्यो साव्ळ्यो** (कादंबरी, मेल्विन जे. वास केलराय)
27. **जिण्ये काणिक** (कादंबरी, कन्नड, मोनिका डेसा मथायस)
28. **पाव्सा थेंबे** (कविताजमो, आविल रस्किन्हा)
29. **काळिज उसय्लां** (लॅखनां, कन्नड, उदय एन. म्हांब्रो)
30. **मुरळिचो नाद** (कविताजमो, प्रसन्न निड्डोडी)
31. **आशावादी -२५** (विशॅस अंको, कन्नड)

२०२६

1. **एक नवो संसार** (कथाजमो, नागरी, मा.चॅतन लॉबो)
2. **आम्गेल्यो कोंकणी काणियो** (कथाजमो, नागरी, मा.जॅसन पिंटो)
3. **WFH अनी हेर कथा** (कथाजमो, नागरी, वल्ली क्वाड्रस)
4. **जिणये काणीक** (नवालिका, मोनिका डेसा, त्रि-लिपिंत)
5. **अंतर मन** (कविताजमो, नागरी, उर्जिता भोबे)
6. **साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (अध्ययन, नागरी)
7. **कथाविहान** (अध्ययन, नागरी)
8. **चल दोन चंद्रांक** (अध्ययन, नागरी)
9. **कथापाठ** (अध्ययन, नागरी)
10. **आशावादी-२५** (विशॅस अंको, नागरी)

२०२६

1. **नवी दिशा** (कथाजमो, नागरी, मोनिका डेसा)
2. **कथन** (अध्ययन, कन्नड)
3. **कथन** (अध्ययन, नागरी)
4. **नवी दिशा** (कथाजमो, नागरी, मोनिका डेसा)
5. **कथन** (अध्ययन, कन्नड, वल्ली क्वाड्रस)
6. **कथन** (अध्ययन, नागरी, वल्ली क्वाड्रस)

# डिजिटल इ-पुस्तकां

2005

1. **सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (पय्लें इ-पुस्तक: कवितासंकलन, कन्नड)

2021

1. **विल्फी रेबिंबसाच्यो कथा** (अध्ययन, कन्नड)
2. **विल्फी रेबिंबसाच्यो कथा** (अध्ययन, नागरी)
3. **विल्फी रेबिंबसाच्यो कथा** (अध्ययन, रोमी)
4. **नवी दिशा** (कथाजमो, नागरी)
5. **छाबूक आनी हेर कथा** (कथाजमो, रोनाल्ड मोंतेरो)
6. **फांत्यापाराचें सपण** (कथाजमो, वाल्टर नंदळिके)
7. **सिसिफस तेंग्शेर** (कविताजमो, कन्नड, शैलेंद्र मेह्ता)
8. **इंद्रधोणु उदेंव** (कविताजमो, कन्नड, उदय एन. म्हांब्रो)
9. **अंतर नाद** (कविताजमो, कन्नड, उर्जिता भोबे)
10. **अंतर नाद** (कविताजमो, नागरी, उर्जिता भोबे)

2022

1. **चल दोन चंद्रांक** (अधयन, कन्नड, वल्ली क्वाड्रस)
2. **चल दोन चंद्रांक** (अध्ययन, नागरी, वल्ली क्वाड्रस)
3. **कथाविहान** (तुलनात्मक अध्ययन, कन्नड)
4. **कथाविहान** (तुलनात्मक अध्ययन, नागरी)
5. **कथाविहान** (तुलनात्मक अध्ययन, रोमी)
6. **मनस्फोट** (कविताजमो, नागरी, सियालिनी फेर्नांडिस)
7. **मनाचें नातें** (कविताजमो, नागरी, फिलोमेना सांफ्रान्सिस्को)
8. **पड्साद** (संपादकीयां, नागरी, वल्ली क्वाड्रस)
9. **तांब सुर्या हांव** (कविताजमो, कन्नड, प्रकाश द. नाय्क)
10. **सत्यकाम** (कविताजमो, नागरी, आर. एस. भास्कर)
11. **माय** (कविताजमो, नागरी, सरस्वती द. नाय्क)

2022

1. **लॉक्डाव्न** (कवितासंकलन, कन्नड+नागरि+रोमी)
2. **पय्णारी जर्नल** (विशेस अंको, कन्नड)
3. **पय्णारी जर्नल** (विशेस अंको, नागरी)
4. **पय्णारी जर्नल** (विशेस अंको, रोमी)
5. **सुर्यो उदेला** (कथासंकलन, कन्नड)
6. **क्याथरीन रोड्रिगसाच्यो कथा** (कथाजमो, कन्नड)
7. **सांकव** (कथाजमो, कन्नड, वल्ली क्वाड्रस)
8. **सांकव** (कथाजमो, रोमी, वल्ली क्वाड्रस)
9. **आप्लो पर्की** (कविताजमो, कन्नड, प्रसन्न निड्डोडी)
10. **आप्लो पर्की** (कविताजमो, नागरी, प्रसन्न निड्डोडी)

2023

1. **कवी आनी कविता** (कविताजमो, नागरी, शरत्चंद्र शेणय)
2. **मौन शब्ध** (कविताजमो, नागरी, एन. बालकृष्ण मल्य)
3. **आत्म्नाद** (कविताजमो, नागरी, वैष्णवि. पि. राय्कर)
4. **साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (अध्ययन, कन्नड)
5. **साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (अध्ययन, नागरी)
6. **साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (अध्ययन, रोमी)

7. **पय्णारी जर्नल** (विशेॆस अंको, कन्नड)
8. **पय्णारी जर्नल** (विशेॆस अंको, नागरी)

2024

1. **मृगजळ** (कथाजमो, कन्नड, डो.एड्वर्ड एल. नज्रेत)
2. **मृगजळ** (कथाजमो, नागरी, डो.एड्वर्ड एल. नज्रेत)
3. **तिची काणी** (कथाजमो, कन्नड, डो.जयंती नाय्क)
4. **पय्ली भेट** (कथाजमो, नागरी, मा. रोय्सन फेर्नांडिस)
5. **आम्गेल्यो कोंकणी काणियो** (कथाजमो, कन्नड, मा.जॅसन पिंटो)
6. **आम्गेल्यो कोंकणी काणियो** (कथाजमो, नागरी, मा.जॅसन पिंटो)
7. **सप्णांत्ल्या गांवाची वाट** (कविताजमो, कन्नड, उदय म्हांब्रो)

2025

1. **कात्रिन** (कादंबरी, कन्नड, विल्ली गॉयेस)
2. **दर्या गाजोता** (कविताजमो, कन्नड, र.वि.पंडित)
3. **आशावादी-२५** (विशेॆस अंको, कन्नड)

2026

1. **कथन** (अध्ययन, नागरी)

## डिजिटल आ(आडियो) पुस्तकां (2018-2026)

(यूट्यूबांल्या 'आशावादी प्रकाशन' च्यानलाचेर)

1. **कथादाय्ज** (वल्ली क्काड्रसाच्यो ३० कोंकणी कथा)
2. **सुर्यो उदेता** (राश्ट्रीय मट्टाच्यो २७ कोंकणी कथा)
3. **मायानगरी** (वल्ली क्वाड्रसाच्यो मुंबय्च्यो ३० कथा)
4. **लॉक्डाव्न** (कोंकणी कविता संकलन)
5. **सुर्यो उदेला** (राश्ट्रीय मट्टाच्यो २७ कोंकणी कथा)
6. **कथामृत** (क्लेरेन्स कैकंबाच्यो २० कोंकणी कथा)
7. **कथाझर** (कोंकणी कथा संकलन ६० कोंकणी कथा)
8. **मृग्जळ** (डो.एड्वर्ड एल. नज्रेताच्यो २० कोंकणी कथा)
9. **कथाहार** (कोंकणिच्यो पन्यों ३५ कोंकणी कथा)
10. **कथन** (कातोलिक पाद्री कथाकारांच्यो कथा)
11. **स्टॅन अगॅराच्यो कथा** (स्टॅन अगॅराच्यो ३० कोंकणी कथा)
12. **गॉलिमार्च्यो कथा** (डो.एड्वर्ड एल. नज्रेताच्यो २० कथा)
13. **कोंकणी - लिपी उतरोन** (कथा संकलन)
14. **एडवीन जे. एफ. डिसोजाच्यो कथा**
15. **क्यथरीन रोड्रिगसाच्यो कथा**



# वल्ली क्वाड्रस

मूळ कथाकार, कादंबरिकार, कवी. पाटल्या चाळीस वरसां थाव्न 'काणीक', 'उदेव', 'आमचो युवक' तशेंच हेर नेमाळ्यांनी, तशेंच **दाय्ज.कोम** (२००३-२०११), **पयणारी.कोम** (२०१५ थाव्न) डिजिटल साहित्याचें, **आशावादी प्रकाशन** (२००० थाव्न), तशेंच **कोंकणकार प्रकाशन** (२००० थाव्न) संपादन. कोंकणी साहित्याचेर तशेंच लिप्यंतरणाचेर मंग्ळुरच्या, गोंयच्या कोलेजिंनी कामासाळां चलयल्यांत. २००४ इस्वेथाव्न '**कवितापाठ**' तशेंच '**कथापाठ**' म्हळ्ळीं साहित्यीक **अध्ययनाचीं** कामासाळां चलयल्यांत. **कवितापाठ** (२००५), **दरयाक उदक** (२००६), **काळोक नातल्लो गांव** (२००७), **मुग्दनात्लिं गितां** (२०१७), **सुकती भरती** (२०१८) पांच कविता अध्ययनाचीं पुस्तकां, अध्ययनाचीं पुस्तकां, **कथाविहान**, **चल दोन चंदरांक**, **साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा**, **कथापाठ** (२०२५) अशें चार कथा अध्ययन पुस्तकां पर्गटल्यांत. गोंयच्या कोंकणी अकाडेमिन नागरी लिपिंत '**मुग्दनातल्लीं गितां** (२०२०)' पर्गटलां. राष्ट्र मट्टाच्या अध्ययनाचिं डिजिटल कामासाळां '**कथापाठ**' सात शिंकळेंनी पन्नासांवयर वेबिनारां चलयल्यांत.

युरोपांतल्या एका बहुराष्ट्र कंपेनिचो **ग्लोबल वैस-प्रेसिडेंट** (डेलिवरी आनी कंप्लायन्स) जाव्न वावुर करुन आसा. कोंकणिच्या (तीन लिपिंत) पयणारी डिजिटल जर्नलाचो संपादक जावनासा.

**आशावादी प्रकाशन**

978-81-689586-1-6

Rs.**150**